मम्मी मम्मी काणी सांग

कुमूद भिकू नायक

मम्मी मम्मी काणी सांग

कुमूद भिकू नायक

जैत प्रकाशन

मम्मी मम्मी काणी सांग
– कुमुद भिकू नायक

Mammi Mammi Kani Sang
- Kumud Bhiku Naik

- प्रकाशन क्र. : 38

- © भिकू बोमी नायक

- **पयली उजवाडावणी :**
  डिसेंबर 2009

- **उजवाडावपी :**
  सुरेश सगुण नायक
  जैत प्रकाशन
  336/11, कोर्लीम,
  तिसवाडी, गोंय – 403 110
  मोबाइल : 9850465229

- **छापपी :**
  सह्याद्रि ऑफसेट सिस्टम
  कोर्लीम, तिसवाडी–गोंय

- **अक्षरजुळणी:**
  रीया ग्राफिक्स,
  मोबाइल : 9049749211

- **मुखचित्र आनी चित्रां :**
  आनंद कवठणकार

- **मोल : 60/– रुपया**

- **प्रति – दोन हजार**

म्हजे मदल्या
साहित्यीक गुणाक पारखून
पोसवण दिवपी
म्हज्या जिवनसांगात्याक.

– कुमूद

आशीर्वचन...

'मम्मी मम्मी काणी सांग'चे छापील फॉर्म खासा मम्मीनूच म्हज्या हातांत दिले आनी म्हळें 'हाचेर कितेंय बरोवन दी.' हांवें रोखडेच ते वाचपाक घेतले आनी कितें सांगूं - कांय खिणांत हांव पांच स वर्सांचे पिरायेंचो एक ल्हान भुरगो जालों आनी बाय कुमूद म्हजी मम्मी जाली.

भुरग्यांविशीं काळजांत उपाट मोग आसले बगर अश्यो काणयो कोणाकूच बरोवंक येवपाच्यो नात. कोंकणी बरपावळींत कविता म्हळी म्हणटकूच बाकीबाब दोळ्यांमुखार उबे रावतात. कथा म्हळ्यो म्हणटकूच चन्द्रकान्त केणी उबे रावतात. नाटकां म्हळीं, बाब पुंडलीक नायक उबे रावतात. दिसपट्टी, प्रवासवर्णनां, ललीत निबंद म्हळे, रवीन्द्र केळेकार उबो रावता तश्यो भुरग्यांल्यो काणयो म्हणिनाफुडें लोकांमुखार बाय कुमुद नायक उबें रावतलें हे विशीं आतां म्हज्या मनांत इल्लोय दुबाव उरूंक ना.

बाय कुमुदाक ह्या मळार खूब येस मेळूं म्हूण आंवडेतां. मेळटलें म्हळ्यार मेळटलेंच हेविशीं म्हज्या मनांत तरी दुबाव ना.

रवीन्द्र केळेकार

प्रियोळ,

3 नोव्हेंबर 2009

मांडावळ

1. मम्मी मम्मी काणी सांग 7

2. गाडी नंबर 108 14

3. रामभट.. 19

4. खरो इश्ट..................................... 25

5. परिणाम....................................... 32

6. बुदवंत कोलो................................. 36

7. एकवट 43

8. भाटकार 50

9. कामाचें मोल 56

10. गोपी... 63

मम्मी मम्मी काणी सांग

विनीत आवय-बापायचो एकलोच चलो. ना, ना म्हूण खूप वर्सांनी जाल्लो. घरचीं आनी वाड्यावयलीं ताची खूप अपुरबाय करतालीं. दारांत कोणूय गाडी घेवन आयलो जाल्यार ताका एक पासय मारून हाडची पडटाली. आवयक मात पुताचे चड लाड-अपुरबाय जाता ते पळोवन भंय दिसतालो. तिका वाचपाची खूब आवड आशिल्ली. ती सदांच पेपर वाचताली. तेचबरोबर काणयांची पुस्तकां आनी मासिकांय वाचताली.

एक दीस ती अशीच मासिक वाचीत बशिल्ली. त्या मासिकांत ल्हान भुरग्याचेर एक काणी आशिल्ली. काणयेतल्या भुरग्याचे नांव राजेश. आवय बापायचो एकलोच चलो. आवय - बापूय दोतोर. ती आपल्या भुरग्याची खूब अपुरबाय करताली. तो सांगता आनी मागता तें दिताली. तांचेकडेन पयसोय भरपूर आशिल्लो. ताका लागून ताका जाय जाय तें हाडून दिताली. भुरगो जसो व्हडलो जायत गेलो तशी ताची हट्ट्रीपणा वाडत गेली. स्कूलांत सारको वचप ना, आपुण सांगता तशें आवय-बापायन वागचें अशें ताका दिसपाक लागलें. तरी आसताना वा आवय-बापायक तो भुरगोच आसा अशें दिसतालें. फुडें फुडें ताचे बरोबर भोवपी बरे-बरे भुरगे ताका सोडून गेले आनी तवनास भुरगे ताचे इश्ट जालें. तो जाय

तितले पयशे आवयकडल्यान घेवन मोडपाक लागलो आनी एक दीस गुंडगिरीक लागून पुलिसेन ताका भितर उडयलो. हें जेन्ना आवय-बापायक कळ्ळें तेन्ना तांकां खूप दुख जालें. मासिकातली काणी वाचतकच तिका आपलोच चलो असोच जातलो काय? आपणाचेरूय अशीच परिस्थिती येतली काय? अशे तरेचे नाका ते विचार तिच्या तकलेत येवपाक लागले. पूण तिचे मनूच तिका म्हणपाक लागलें. ''आगे, असले विचार तकलेत घेवन बसचे परस फुडें अशें कांयच घडचे न्हय अशें तरेचो विचार कर.

तिकाय ते खरें दिसलें.

विनित आता आठ वर्सांचो जाल्लो. गिन्यानाच्यो ल्हान-ल्हान काणयो सांगून विनिताच्या मनात बरे विचार घालप अशें तिणें थारायलें. पूण चल्याक गिन्यानाच्यो काणयो सांगताना ताच्या बरोबरच्या भुरग्यांकूय त्यो

काणयो सांगल्यार आनीकय फायदो जांव येता अशें तिका दिसलें.

एक दीस तिणें आपूण कितेंय तरी करून दाखयतलीच म्हण निश्चय केलो आनी आपल्या घराच्या गेटीचेर व्हडलो बोर्ड मारलो. त्या बोर्डाचेर सांजे सात ते आठ मेरेन ''भुरग्यांखातीर काणयो आयकुपाची संद'' अशें बरयले. वाटेन येतना वतना भुरगे तो बोर्ड वाचतालें. सगळ्यांक ही गजाल कळळी. सगळे शेजारी आनी वाटेन वचपी लोकूय विनीतागेर आयलें.

विनिताचे मम्मी, तुमचे गेटिचेर बोर्ड लायला तो वाचून आमी तुकां सगळीं मेळपाक आयल्यांत. 'भुरग्यांक काणयो कोण सांगतलो?' ट्यूशनबी घेतात म्हणपाचे बोर्ड लायतात तें जाणां आशिल्लीं. पूण काणयो आयकुपाखातीर येवचें, असो बोर्ड लायला तो पळोवन आमी अजापूच जालीं. 'अजाप कसलें तातूंत, आताच्या भुरग्यांक काणयांच्या रुपान गिन्यान मेळपासारखे नवें नवेंच शिकोवचें पडटा. हांव कामाक कांय वचना. घरातूच आसता न्हय. भुरग्यांच्या सुदारणेच्या नदरेन कितें तरी करुंया म्हणटलें.

हांव म्हज्याय भुरग्यांक धाडटा तर... पूण काणयो आयकुपाची फी कितली घेतली तू?

फी बीन तसले कांय नागे! धाड तूं तुगेल्या भुरग्यांक. कोण कोण विचारता तांकां विनिताचे मम्मीन हीच जाप दिली.

विनीताली मम्मी काणी सांगता म्हणटकच वाड्यावेली सगळीं भुरगीं ट्यूशनाक आयिल्ल्या भाशेन विनीतागेर साता पयलींच येवपाक लागली. विनीत आवयक मम्मी म्हणटा तें पळोवन सगळी भुरगींय तिका मम्मीच म्हणपाक लागली. तिणें सगळ्या भुरग्यांक बसपाक शेंदरी घालून दिली आनी आपूणय शेंदरेचेरूच बसली. दर दिसाक ती खंयच्या ना खंयच्या तरी एका विशयाचेर काणयेच्या रुपान देख घेवपासारकी काणी सांगताली. भुरग्यांकूय त्यो काणयो खूब आवडटाल्यो. काणयो सांगपाक मातसो सुद्धा वेळ जालो जाल्यार सगळीं भुरगीं तिचे म्हऱ्यांत येवन 'मम्मी मम्मी काणी सांग' म्हणत तिचे फाटल्यान भोंवताली. मागीर ती हातांतलें काम थंयच सोडून तांचेबरोबर बसताली. विनीताक खरें म्हणटल्यार एकाच जाग्यार बसून रावपाची सवंय नाशिल्ली. पूण सगळीं भुरगीं बसतात म्हणटकच ताकायबीन बसपाची सवंय जाली.

जनावरांच्यो, राकेसांच्यो काणी सांगता सांगताच भुरग्यांक तीं आवय बापायकडेन आनी जाणट्या मनशांकडेन कशें वागप? सोरो, शिगरेटी ओडल्यार कितें जाता, रस्त्यार विकपाक येवपी उगडें खाण खाल्ल्यार कितें जाता भुरग्यांनी कित्याक शिकपाक जाय आनी शिकना जाल्यार कितें जाता, अशे तरेचे विशय घेवन पूण काणयांचे रुप दिवन ती भुरग्यांक सांगताली. काणयो आयकून भुरग्यांचेर बरो असर पडपाक लागला अशें भुरग्यांचे आवय-बापूय तिका मुद्दाम येवन सांगताली एक-एक नवें विशयबीन घेवन तिचेमुखार मांडटालें. पूण तातूंतल्या तातूंत सगळ्यात चड जणांची सुचोवणी आशिल्ली ती म्हणटल्यार 'भुरगीं शाळेत वतना टिफीन

व्हरनात म्हण.'' भुरग्यांक पटपा सारखें कितेयतरी सांगचे म्हणपाची तांची विनवणी आशिल्ली. तांचे विनवणे प्रमाण विनिताचे मम्मीन भुरग्यांक तशे तरेची काणी सांगपाक सुरवात केली.

एका गांवांत एक ल्हान शाळा आशिल्लीं. तातूंत चवथी मेरेन भुरग्यांक



शिकयताली. शिकोवपाक दोन टिचर आशिल्ले. त्या शाळेतलीं भुरगीं केन्नाच घराकडल्यान टिफीन व्हरं नाशिल्लीं. टिफीना बदला सदांच आवय-बापायकडल्यान पयशे घेवन येताली. त्या शाळेत आयस्क्रिमवाले, मको भाजून दिवपी गाडे, भेळ-पुरीचे गाडे, घण... घण अशे आवाज करित येताले. तो आवाज आयकतकूच शाळेतलीं सगळीं भुरगीं इंटरवालाक गाड्याभोंवतणी जमा जाताली आनी घराकडल्यान मागून हाडिल्ल्या पयशांनी असले तरेचें खाण घेवन खाताली. एक दीस किते जालें, शाळेतलीं सगळीं भुरगीं दुयेंत पडली. कांय भुरगी ओकपाक लागली,

कांय भुरग्यांक संडासाक जावपाक लागलें आनी कांय जणां पोटांत दुखता म्हण रडपाक लागलीं. भुरगीं वळवळटात ते पळोवन टिचरानीच भुरग्यांक दोतराकडेन व्हेली. दोतोरान तांकां बेगो-बेग तपासली आनी आयच्या दिसाक कितें कितें खाल्ले काय म्हण विचारलें. तेन्ना भुरग्यांनी इंटरवालाक कितें खाल्लेलें तें सगळें सांगलें. हे आयकून दोतोर भुरग्यांबरोबर त्या शाळेत गेलो. थंय आशिल्ल्या गाड्यावाल्याकडल्यान पाव-भाजी, भेळ-पुरी घेवन पळयली. भेळ-पुरी तपासतना दोतोराची नदर भेळपुरीवाल्याच्या हाताचेर पडली. ताच्या उजव्या हाताक घावो जाल्लो. त्या घाव्याचेर तांणी वखद सुद्धा लावंक नाशिल्लें. त्याच हातान तो हें सगळें करतालो आनी तीं भुरगीं मोठ्या उमेदीन तें खाण खाताली. त्या घाव्याक लागून सगळ्यां भुरग्याक इंनफेक्शन जालां म्हणपाचे दोतोरान सांगलें. इतले म्हणसर थंयच ताका भजी करपी दादलो दिसलो. पळयना बरोबर दोतोरान ताका वळखलो. तो दुयेंत आसा म्हण दोतोराक एक दीस मेळपाक गेल्लो. ताका मलेरिया जाल्लो. खूप ताप येतालो. आतांय भजी करता आसतना तो दुयेंत म्हूण कळटालो. दोतोर ताच्या म्हऱ्यात गेलो. दोतोरान सगळ्यां भुरग्यांक भजीवाल्या म्हऱ्यात व्हरून दाखयलें. 'पळयात, हो भजीवालो दुयेंत आसा. ताका मलेरीया जाला तरीपूण तो तेलाम्हऱ्यात बसून आपल्या हातांन भजी करून तुमका दितां आनी तुमी तीं खातात. ताका लागून तुमी सगळीं दुयेंत पडल्यात.

दोतोरान भजीवाल्याक आनी त्या गाड्यावाल्याकूय समजावन सांगलें, ''पळय, तुमी दुयेंत आसातूच पूण तुमकां लागून ही सगळीं भुरगीं दुयेंत पडल्यात. आपणाच्या पोटाखातीर दुसऱ्याक मारू नाकात. भुरगीं हें सगळें पळोवन भियेली. डॉक्टरान सांगचे पयलीच भुरग्यांनीच दोतोराक सांगले, 'दोतोर, आयज साकून आमी केन्नाच भायलें खाण खावचीं नात. घराकडल्यान सदांच टिफीन हाडटली. हे आयकून दोतोराकूय भुरग्यांची

लक्तूबाय दिसली. तेन्नासांवन भुरग्यांनी भायलें खाण खावपाचें बंद केलें. आनी सगळीं भुरगींय बरी जाली.

काणी आयकून थंय बशिल्लीं सगळीं भुरगीं म्हणपाक लागली, खरेंच मम्मी, "आयज साकून आमी रस्त्यावेले उगडें खाण खांवची नात. मम्मीकडेन पयशे मागचीनात. आमी सदांच घराकडल्यान टिफीन व्हरतलीं. ते दिसाच्यान खऱ्यांनीच भुरग्यांनीं इंटरवालाक भायलें खाण खावपाचे बंद केलें. पूण तेन्ना साकून मात भुरग्यांक काणयो आयकूपाची इतकी संवय जाल्ली की फाविल्ल्या वेळार भुरगीं आपल्या आवयक मम्मी मम्मी काणी सांग... म्हण फाटल्यान लागताली. विनीताच्या मम्मीन सांगिल्ल्या काणयांक लागून भुरग्यांच्या आवयांकूय काणयांची पुस्तकां वाचपाची आवड निर्माण जाली.

आपल्या भुरग्याबरोबरूच वाड्यावेल्या सगळ्यां भुरग्यांची जाल्ली सुदारणां पळोवन विनिताचे मम्मीक सुमाराभायर खोस जाली.

●●●

गाडी नंबर 108

दुर्गा नांवाची एक नुस्तेकान्न मडकय गांवांत रावताली. वाड्यावयलीं सगळीं तिका दुर्गामावशी म्हणटालीं. दुर्गामावशेचो घोव सामको भुरगेपणांतूच गेल्लो. तिका भुरगीं – बाळांय नाशिल्लीं आनी नात्यांतलोयबी कोणूच नाशिल्लो. गांवच्यांनी तिका परतून लग्न जा म्हण सोयरीगती बी हाडिल्ल्यो. पूण दुर्गामावशी परतून लग्न जावपाक कशीच तयार जायना जाली. ती आपली एकटीच जीण सारताली. आतां दुर्गामावशेक पन्नाशेक वर्सां आसतलीं.

दुर्गामावशी सकाळची बेगीनच भायर सरून वताली. दुसऱ्याकडल्यान नुस्तें विकतें घेताली, आपूण विकताली आनी सांजे स मेरेन घरा पावताली. वाड्यावेलीं सगळीं भुरगीं दुर्गा मावशेगेर आसतालीं. घरा येतना ती भुरग्यांक खावपाक केळीं, ॲपलां, मोसंबी, नाजाल्यार चॉकलेटी तरी हाडटालीच. इतलेंच न्हय तर दुर्गा मावशी ह्या सगळ्यां भुरग्यांक सद्दां रातची बाजारांत घडिल्ल्यो गजाली काणी कशी करून सांगताली. भुरग्यांक इतकी संवंय जाल्ली कीं मावशेन काणी सांगलेबगर भुरगीं घरा वचनाशिल्लीं. त्या भुरग्यांभितर सामकीं ल्हान म्हणल्यार चार–पांच वर्सांच्यो दोन चलयो आशिल्ल्यो. जाल्यार बाकीच्यो सगळ्यो सात–आठ वर्सांच्यो आशिल्ल्यो. मावशेन त्या

दोगांय भुरग्यांक चिंटू आनी बिट्टू अशीं नांवां दवरिल्लीं. तिणें तांकां "चिंटू, बिट्टू" असो उलो मारल्यार पुरो, तीं रोखडींच न्हिदेंतल्यान सुद्धां 'ओ' म्हणत फडफडीत उट्टालीं. कोणूय मावशेगेर वचत जाल्यार मावशी घरांत एकलीच रावता अशें म्हणचोच नाशिल्लो. रातचीं न्हिदपाक सुद्धां एक दोन भुरगीं आसतालींच.

नुस्तें विकपाक मात्शी सांज जाली म्हणटकच मावशेचो जीव सामको वयर-सकयल जातालो. बरोबरचीं मागीर तिका म्हणटालीं, "कितें गो दुर्गा, तूं एकलेंच रावता आनी तुका गो कसलो हुस्को? आमचीं तरी भुरगीं - बाळां आसात. तिवूंय आमी दुसरेकडेन दवरून येतात. आमी कितें करूंक फावो?" अशें म्हणटकच ती म्हणटाली, "वाड्यावेलीं सगळीं भुरगीं म्हजींच म्हणल्यार जाता. म्हाका वचपाक वेळ जालो जाल्यार तातुंतलीं दोगां भुरगीं रडपाक लागतात." आनी खरेंय बी. मावशेक येवपाक वेळ जालो

जाल्यार चिंटू आनी बिट्टू रडपाक लागतालीं. त्या भुरग्यांखातीर मावशेक बेगीबेगीन धांवचें पडटालें. हाकाच लागून मावशेक आपूण एकली अशें केन्नाच दिसलें ना.

एक दीस सदचे प्रमाण सांजेची दुर्गामावशी कामाकसाकून आयली. भुरग्यांक खावपाक बी दिलें, आपलें आसा तें काम केलें आनी काणी सांगपाक म्हूण बशिल्ली. इतल्यांत तिका कितें तरी जावपाक लागलें आनी ती बशिल्लेकडेन सकल पडली. मावशी पडल्या तें पळोवन सगळीं भुरगीं भियेलीं, कितें करचें तें तांकां कळना जालें. तांच्या वाड्यार कोणाकडेनूच गाडी नाशिल्ली. एक – दोगां जाणागेर स्कुटरी आशिल्ल्यो. दोतोरूय लागी



नाशिल्लो.

मावशेच्या घरालागींच जॉनी अंकलाचें घर आशिल्लें. त्या घरांत घोव आनी बायल दोगांच रावतालीं. तांकां दोगां भुरगीं आशिल्लीं. पूण तीं दोगांय दुबय आसतालीं. वाड्यावेलीं भुरगीं तांकां अंकल आनी आण्टी म्हण उलो

मारतालीं. तांगेर फोन बी आशिल्लो. गरजेवेळार लोकांक फोन करपाक तीं दितालीं म्हणपाचें ह्या भुरग्यांकूय खबर आशिल्लें. चिंटू आनी बिट्टून वेळ केलो ना. बेगीबेगीन तीं दोगांय त्या अंकलागेर गेलीं. अंकलाच्या घराचें दार बंद आशिल्लें. दाराक बॅल आशिल्ली, पूण भुरग्यांचे हात थंय पावना जाले. भुरग्यांनी दाराचेर हात मारून 'अंकल... अंकल' असो उलो केलो. आवाज आयकून अंकलान रोकडेंच दार उगडलें.

"कितें जालें? इतके रातचीं तुमी हांगा कितें करतात?" म्हूण अंकलान विचारलें. पूण तीं भुरगीं तागेलें आयकनासतना फोनाकडेन धांवत गेलीं फोन उखल्लो आनी 108 नंबराचेर फोन डायल केलो... हॅलो... हॅलो... 108 नंबर, आमची दुर्गामावशी बरी ना. ती सकयल पडली, तिचेकडेन उलोवपाक जायना. बेगीन यो... म्हूण रडत रडत तीं सांगपाक लागलीं. हें आयकून 108 वाल्यांनी भुरग्यांक पत्तो विचारलो.

"तिचें नांव दुर्गामावशी, सद्दां आमकां खावपाक हाडटा आनी काणी सांगता." हें आयकून तांकांय कळळें आसतलें कीं हीं भुरगीं ल्हान म्हूण.

"तुमचे म्हऱ्यांत आनीक कोण आसा?"

"अंकल आसा."

"तशें जाल्यार ताचेचकडेन दी..."

बिट्टून अंकलाकडेन फोन दिलो. अंकलान तांकां जागेचो पत्तो सांगलो.

बेगीबेगीन अंकल आनी तीं भुरगीं दुर्गामावशेगेर आयलीं. वाड्यावेले सगळे थंय जमा जाल्ले. कोण उदक मारता, कोण वारें घालता, कोण कांदो धाडायता ते म्हणसर धा मिनटांभितर 108 नंबराची गाडी आयली. ते गाडयेंत एक दोतोर आनी एक नर्सूय आशिल्ली. दोतोरान तिका पयलीं तपासली आनी रोखडीच गाडयेंत घालून हॉस्पिटलांत व्हेली. रोकड्या रोकडोच मावशेचेर उपचार जालो म्हूण मावशी वाटावली अशें दोतोरूच

म्हणपाक लागले. वाड्यावेले सगळे लोक एकमेकाक विचारपाक लागले, "दोतोराक कोणें आपयलो? हॉस्पिटलांतली गाडी कशी आयली?" तेन्ना अंकल येवन म्हणपाक लागलो, "चिंटून आनी बिट्टून 108 नंबराक फोन केलो." वाड्यावेल्या कांय जाणांक 108 नंबराचेर फोन केल्यार गाडी येता म्हण खबरूय नाशिल्ली. सरकारान लोकांखातीर इतली बरी सोय केल्या हें कांय जाणांक त्या दिसाकूच कळ्ळें. सगळ्यांनी वचून चिंटूक आनी बिट्टूक विचारलें, "बाय तुमकां कशें कळळें 108 नंबराचेर फोन केल्यार गाडी येता म्हूण?" "इल्लींशीं भुरगीं, पूण हांकां आमच्याकूय चड खबर आसा न्हय?" अशीं उतरां कांय लोकांच्या तोंडांतल्यान आयकुपाक येवपाक लागलीं.

बिट्टून सांगलें, "आमकां हें सगळें दुर्गामावशेनूच सांगिल्लें, घरांत कोणूय चड बरो नाजाल्यार आनी त्या दुयेंत मनशाक व्हरपाक कोणूच नासल्यार 108 नंबराचेर फोन केल्यार रोकडेच ते गाडी घेवन येतात म्हूण. उजो खंय लागलो आनी तो व्हड जायत जाल्यार फायरब्रिगेडीक फोन करपाक जाय म्हण मावशी आमकां सदांच सांगताली आनी ते सगळे नंबर तिणें आपल्या घराचे वणटीचेर आमचेच कडल्यान बरोवन घेतिल्ले.

हें आयकून वाड्यावेलीं सगळींच म्हणपाक लागलीं, खरेंच मावशेन भुरग्यांक काणीच न्हय तर गरजेक पडपाच्योय गजाली सांगिल्ल्यो आनी ह्या गजालींक लागून आयज मावशेचोच जीव भुरग्यांनी वाटायलो. ते खातीर सगळ्यांक भुरग्यांची लक्तुबाय आनी मावशेची व्हडविकाय दिसली.

रामभट



एक आशिल्लो रामभट. सगळे लोक ताका 'रामभट'च म्हणटाले. रामभट रावता त्या वाड्यार सगळींच धा-पंदरा घरां आशिल्लीं. लागींच एक ल्हानशें देवूळ आशिल्लें. त्या वाड्यावयल्या सगळ्या घरांतलीं देवकार्यां आनी त्या देवळांतली पुजा रामभट करतालो. रामभटाक सात चले आशिल्ले. भटपण करून तो आपल्या बायल-भुरग्यांक पोसतालो.

रामभटाक सदांच दिसतालें आपूण सातूय भुरग्यांक खूब-खूब शिकयतलों आनी तातुंतल्या स भुरग्यांक शिर्विसांक लायतलों. एकल्यान मात आपणासारकें भटपण केल्यार पुरो.

कांय तेपान त्या धा-पंदरा घरांच्या जाग्यार पन्नास-साठ घरां जालीं. थंयच्या लोकांनी तें देवूळय व्हडलें केलें. मागीर रामभटाक दिसभर देवळांतूच रावचें पडूंक लागलें. गांवच्या घरांतलीं कार्यां करपाक ताका वेळ पावना जालो. रामभटालेय चले आतां व्हडले जाल्ले. तो आपल्या चल्यांकूय कांय घरांनी देवकार्यां करपाक धाडपाक लागलो. चलेय उमेदीन वचपाक लागले. एक दीस रामभटान आपले बायलेक म्हणलें, 'जाणा मगे सुवासिनी म्हाका म्हज्या सातूय चल्यांक खूब-खूब शिकोवपाची आनी शिर्विसांक लावपाची इत्सा आशिल्ली. पूण शिर्वीसो पळोवपा खातीर हांव

खंय भोंवतलों? म्हजेकडेन आता पयलीं भाशेन जायना. भुरगेय भटपण करपाक शिकल्यात. भटपण करप हो आमचो धंदोच न्हय गे? तेन्ना आमी भुरग्यांचीं लग्नां करुंया. आमीय हुसक्या मेकळीं जातलीं. तिकाय तें पटलें.

एक दीस घोवान सांगिल्लेप्रमाण तिणें आपल्या सातूय चल्यांक आपयले. तातुंतले सवूय चले आवय-बापायन सांगिल्लेप्रमाण उमेदीन तयार जाले. पूण धाकलो चलो भटपण करपाक कसोच तयार जायना जालो. रामभटान सवूय चल्यांचीं लग्नां केली. सवूय चले भटपण करून बरे भाशेन रावपाक लागले.



रामभटाच्या धाकल्या चल्याचें नांव शाम आशिल्लें. शाम शिकपाकूय हुशार आशिल्लो. बापायचे इत्सेप्रमाण भरपूर शिकलोय बी. मात्त वाटेन वतना ताका कोणेंय 'भटमाम' म्हणल्यार राग येतालो. तागेले इश्टबीन ताका 'शामभट' म्हूण आपयताले. मागीर तो रागान तांकां म्हणटालो, ‘‘हांव केन्ना तुमगेर भटपण करपाक आयलां? म्हाका शामभट कित्याक म्हणटात? आपोवपाचे जाल्यार म्हाका शाम म्हूण आपयात. ना जाल्यार

आपोवंकूच नाकात.'' मागीर घराकडेन येवन आवय-बापायक आनी भावाकूय सांगून शाम रडटालो, ''हांव काय भटपण करिना, मागीर म्हाका कित्याक 'भटमाम' म्हणपाक जाय?''

''आरे 'भटमांम' म्हणलें म्हूण कितें जालें? आमी भट न्हय? भटाक भट म्हणना जाल्यार कितें म्हणटले? भटपणां करूनच आपणें तुमकां वयर काडल्यात. आतां हे तुजे सवूय भाव भटपण करून आपलें पोट भरतात न्हय? तुजी इत्सा आशिल्ली आनी म्हजीय इत्सा आशिल्ली तेप्रमाण शिकलो तूं! पूण कितें? शिर्वीस कांय ना. शिकलो म्हण जालो ना. पोटाखातीर कितें तरी करपाक जाय. तेन्ना तूंय शिर्वीस मेळसर भटपण कर.'' अशें रामभट शामाक समजावन सांगतालो. आवयबी म्हणटाली, 'कितलोय शिकलो जाल्यारूय भटपण करप म्हणल्यार शिर्वीस.' आपले काम करपाक लज नासता. हें सगळें ताका सांगलें म्हण्टकूच शामाक राग येतालो. मागीर तो जेविनासतनाच दोन दीस रागान रावतालो.

शामालो एक इश्ट टिचर आशिल्लो. तो पेडणेच्या एका स्कूलांत शिकयतालो. त्या स्कूलांत विज्ञान विशय शिकोवपाक टिचर जाय आशिल्लो. ताका ह्या शामाची याद आयली. ताणें रोखडेंच शामाक विचारलें, ''तूं टिचर म्हण स्कूलांत शिकोवपाचें काम करता जाल्यार सांग. हांव शिकयतां त्या स्कूलांत एक टिचर जाय. तुजी तयारी आसा जाल्यार हांव हेडमास्तराक सांगतां.''

शामान रोकडेंच फाटी फुडें पळयनासतना हय म्हूण सांगलें आनी रोखडोच त्या स्कुलांत रुजू जालो. स्कूलांत पगारुय बरो आशिल्लो. थंय रावपाची व्यवस्थाबीन आशिल्ली. स्कूल बरेंच भितर आशिल्लें. ताका लागून शाम थंयच रावपाक लागलो. तो रावतालो त्या वाड्यार पन्नाशेक घरां आशिल्लीं. आनी एक ल्हानशेंच लक्ष्मीचे देवूळ आशिल्लें. दर शुक्राराक पुजा-भजन जातालें. पूण भट मात केन्नाच दिसनाशिल्लो. शाम सदांच

चिंत्तालो, ह्या देवळांत लोक खूब येतात. पूण भट कित्याक ना? एक दीस ताणें त्या वाड्यावयल्या एकले जाणटेलेक विचारलें, 'आगे मावशे, ह्या देवळांत भट बी कोणूच ना? केन्नाच दिसना मगे?''

''ना बाबा, आमी थारायलां देवळांत भट दवरप ना. दर एका घरांतल्या एकल्यान दर दिसा देवळांत वचून देवीची पुजा करप. सारन मारप, देवळांतलीं आयदनां घांसप. दिसाक एकल्यान ती आपल्याचेर जबाबदारी घेवप. कसलोय मोटो उत्सव आसलो जाल्यार गांवचो सगळो लोक एकठांय मेळून करतात. त्या दिसा आमी भट हाडटात. आतां धायेक वर्सां जालीं अशेंच करीत आयल्यात.'' हें आयकून शाम अजाप जालो. ताणें परतून मावशेक विचारलें, ''तुमी कित्याक भट दवरूंक ना?''

''भट दवरलोच म्हूण जायना, ताका पगार दिवपाक जाय. ना जाल्यार देवळांत जी येणावळ मेळटा ती ताका दिवची पडली ना? देवळांत जी कितें येणावळ मेळटा ताचेरूच आमी आमच्या भुरग्यांक वयर काडल्यात. लक्ष्मीचें देवूळ म्हणटकूच पयसुल्ल्यान सुद्धां लोक ह्या देवळांत येतात न्हय? मागीर दिसभर एकल्याक तरी त्या देवळांत रावचें पडटा. धायेक वर्सां जालीं, आमचे जाण्टेले पुजा करताले. आतां आमचे हे सगळे भुरगे शिकून बेकार आसात. हे भुरगेच देवळांतली पुजा करतात. ''मावशी सांगताली तें ताकाय पडटालें. ''म्हजो बापूय म्हाका जायते फावट म्हणटालो, तुकां हांवें भटपण करुनच वयर काडला म्हण.''

एक दीस कितें जालें ? त्या देवळांत देवीचो व्हडलो उत्सव आशिल्लो. दर वर्सा ह्या उत्सवाक भट येतालोच. ते प्रमाण ह्याय वर्सा भटान येता म्हूण सांगिल्लें. पूण कितें जालें कोण जाणा भट आयलोच ना. देवीच्या उत्सवाक सगळीं सोयरीं, धायरीं आयिल्लीं. भरपूर लोक आशिल्लो. देवळांत व्हडली रांग लागिल्ली. देवीक मेळपाक व्हटयो बीन घेवन पयसुल्ल्यान लोक आयिल्ले. पूण भट येवंक ना म्हण सगळीं आबूज जाल्लीं. 'भट कित्याक

येवंक ना? कित्याक वेळ जालो? आता खंयच्यान भट हाडपाचो? ताका कोण सोदूंक वतलो? अशें आयिल्ले गेल्ले लोक विचारपाक लागले. दर एकलो खंयच्या खंयच्या भटाचीं नांवां सांगपाक लागलो. हें सगळें पळोवन शामाकडेन रावपाक जायना जालें. फाटलें फुडलें येवजिनासतना शाम पुडवें न्हेसलो आनी देवळांत गेलो. शामान केन्नाच देवळांत वचून पुजा बी करुंक नाशिल्ली. पूण बापूय पुजा करता आसतना तांणें जायते फावट पळयिल्लें. त्या आदाराचेर तो देवळांत गेल्लो. गांवकारांनी ताचेकडेन देवीक न्हेसोवपाक नवें कापड दिलें. ताणें तें व्यवस्थीत न्हेसयलें. भांगरां-शिंगरांय देवीक घातलीं आनी मोटे उमेदीन देवीची पुजा केली. गांवचो सगळो लोक शामाक पळयत रावलो. शामाल्या इश्टाक शाम 'भट' म्हण खबर आशिल्ली. पूण तो सुद्धां शामाचो अवतार पळोवन थक्क जालो. सगळे लोक एकमेकाकडेन उलोवपाक लागले, कितें ह्या शामाचो अवतार! भटा भाशेनूच न्हय? देवीनूच तयार केलो आसतलो हाका! मागीर शामाल्या इश्टान सगळ्या गांवकारांक सांगलें, "हो शाम कोण तो तुमी जाणात? दर वर्सा हे देवीची पुजा करपाक येता त्या रामभटालो चलो, शाम. ताका भटपणाची आवड नाशिल्ली म्हूण तो शिर्वीस करपाक आयिल्लो." हें आयकून त्या वाड्यावयली मावशी मोठ्ठ्यान म्हणपाक लागली, "ह्या देवीच्या उत्सवाची पुजा हाच्याच हातांतल्यान जावपाची आशिल्ली दिसता. देखून लक्ष्मीनूच घडये हाका भटमाम केलो दिसता."

हें सगळें घडलां तें पळोवन शामाक आपले आवयची याद आयली. ती जायते फावट म्हणटाली, "आमी कितलेय शिकले तरी भटपण करप हो आमचो मूळ धंदो. आपलें काम करपाक आपणें केन्नाच लजपाक जायना". तेन्नाच्यान गांवच्या लोकांनी त्या देवळांतली पुजा करपाचें काम ह्या शामभटाचेर सोपयलें.

पूण आपलो बापूय दर वर्सा ह्या देवळांत पुजा करपाक येतालो जाल्यार



ह्या वर्सा कित्याक येवंक ना म्हूण हुसक्यान शाम घरा वचपाक गेलो. शाम आपल्या बापायचे खबरेक वता म्हण कळटकच गांवचे लोकूय ताचेबरोबर वचपाक तयार जाले. जेन्ना ते रामभटागेर पावले, तेन्ना रामभट दुयेंत आसा म्हणपाचें तांकां कळळें. आपलो बापूय दुयेंत आसा तें पळोवन तो रडपाक लागलो. रामभटान आपल्या चल्याक आनी बरोबर आयिल्ल्या लोकांक पळयलें. गांवच्या लोकांनी रामभटाक सांगलें, ''जाणा मुगा भटमाम, तुमी देवळांत पुजा करपाक येवंक ना म्हूण आमी सगळीं तुज्या हुसक्यान हांगा आयल्यांत. देवळांतलो उत्सव तुज्या चल्याच्या हातांतल्यान जाला. आतां आमी आमच्या देवळाचो 'भटमाम' तुज्या चल्याक केला.'' हें आयकून रामभट खूब खोशी जालो. ताणें आपल्या पुताक वेंगेंत घेतलो. ''खरेंच शाम, तूं म्हजे इत्सेप्रमाण खूब शिकलो. शिर्विसूय केली आनी भटपणूय केलें. कितलोय व्हडलो जालो तरी आपलें काम करपाक लज नासता हें तुवें आमकां दाखोवन दिलें.'' आपली इत्सा शामान पुराय केल्ल्याची खोस रामभटाच्या मुखामळार फांकली. ●●●

खरो इश्ट

चौग जाण इश्ट आशिल्ले. एकल्याचें नांव शाम, दुसऱ्याचें नांव राम, तिसऱ्याचें नांव जुजे आनी चवथ्याचें नांव मायकल. हिंदू आनी क्रिस्तांव म्हूण तांच्यात केन्नाच भेद–भाव नाशिल्लो. ते चौगूय जाण एकमेकागेर वचून जेवताले–खाताले आनी 'एकमेकागेर रावतालेय बी.

ते चौगूय जाण बरोबर शिकताले. तांची अर्थीक परिस्थिती तितकी बरी नाशिल्ली. सगळे शिकपाक हुशार आशिल्ले. कसलीय अडचण जाल्यार ते चौगूय जाण एकमेकाक पावताले. शिकून जाले उपरांत खंय तरी नोकरी करून घरची परिस्थिती सुदारपाक जाय म्हणपाची तांची इत्सा आशिल्ली.

शिकप सोंपलें. चौगूय जाण नोकरेखातीर खूब भोंवले. नोकरेसंबंदान पेपराचेर बातमी वाचली वा कोणेंय सांगली जाल्यार ते सगळे जाण मुलाखतीक वतालें. पूण तांकां खंयच नोकरी मेळनाशिल्ली. शिकता आसतना जितले पयशे खर्च केलेनात तितके नोकरेखातीर मुलाखतीक वचपाक मोडचे पडले म्हूण तांकां दूख्ख जातालें. पूण केन्नाय तरी नोकरी मेळटली हे आशेन ते आशिल्ले.

एक दीस जुजेचो बापूय खूब दुयेंत पडलो. ताका सामकी पयशांची गरज आशिल्ली. ताणें आपल्या तिगांय इश्टांकडेन पयशे मागलें. पूण ते तिगूय

इश्ट बेकार आशिल्ल्यान ताका पयशे दिवपाक शकले नात. पयशे खंयच्यान हाडटलो? कोणाकडेन मागतलो? जुजे सामको चिंतपाक पडलो. ताच्या शेजराक एक मॅकानिक रावतालो. तो गांवांन दिल्लीचो. गाडयांचे सुटे भाग तो आपल्या दारांतूच दवरतालो म्हणपाची जुजेक खबर आशिल्ली. एक दीस जुजेन कितें केलें, बरे रातीचेर ते सगळे पार्ट्स पिशवेंत घालून दवरले आनी दुसऱ्या दिसा ते सगळे पार्ट्स व्हरून बाजारात विकले. मेळिल्ले पयशे बापायच्या वखदाक मोडले. ही गजाल तांणें आपल्या इश्टांकूय सांगली. इश्टांकूय ताची आयडिया आवडली. नोकरी मेळना जाल्यार चोरी केल्यार बरें. पयशेय रोकडेच मेळटात. अशें तांकां दिसलें. पूण ही आयडिया शामाक आवडली ना. तांणें सरळ तांकां आपूण येना म्हण सांगलें. त्या तिगांयनी ताका खूब समजायलो, ''नोकरी जर खंयच मेळना जाल्यार आमी कितें करप? आमची पोटां कोण भरतलो? तूं फकत आमचे बरोबर राव. कितें करपाचें तें आमी करतात.'' शाम चिंतपाक पडलो. आता मुलाखतीक वतलो म्हळयार पयशे नात. कितें करतलो? नाईलाजान शाम तांचे बरोबर वचपाक तयार जालो.

पयलीं आपल्याच गांवांनी ते बारीक बारीक चोरी करपाक लागले. चोरी करून जे कितें पयशे मेळटात, ताचे सारखे तें चार वांटे करताले. त्रास काडिनासतना आयते पयशे मेळटात अशें तांकां दिसतालें. जेवन - खावन ते आता शुशेगाद आशिल्ले. घरचे लोक ते खंय तरी काम करतात म्हण जाणा आशिल्ले. ते चोरतात म्हूण कोणाकूच खबर नाशिल्ली. शाम मात चोरी करिनासलो. पूण तांचेबरोबर रावतालो. मागीर -मागीर तांकां तिगांकूय दिसपाक लागलें, आमी त्रास काडप आनी हाका मात कांय करिनासतना आमचेबरोबर सारकोच वांटो दिवप? हें चिंतून वांटणी करतना तिगूय शामाक वांटणी कमी दिवपाक लागले. पूण शाम मात ते कितें दिताले तें मुकाट्यान घेतालो. तांकां कांयच म्हणी नासलो. दिलेना जाल्यारूय तो

वोगीच रावतालो.

एक दीस शामान पेपरांत बातमी आयिल्ली वाचली. एके कंपनीत पांच कामगार जाय आशिल्ले. शामान हें रोखडेंच आपल्या इश्टांक सांगलें. "आमी चौगूय जाण हे कंपनींत मुलाखतीक वचुंया." पूण ते तिगूय मुलाखतीक वचपाक तयार जायना जाले. "तुका वचपाचें आसल्यार तूंच वच. आमकां नोकरी करपाची गरज ना." ते तिगूय शामाचेर तिडकले. कारण तांकां आतां चोरी करून पोट भरपाची संवंय जाल्ली. शेवटाक शाम तांकां सोडून कंपनींत मुलाखतीक गेलो. थंय ताची हुशारकी पळोवन ताका वेंचुनूय काडलो. तो रोखडोच कामाकूय रुजू जालो. कामाक लागना बरोबर घरच्यांनी ताचें



रोकडेंच लग्नूय केलें. शाम घरच्यां वांगडा बरेभशेन रावपाक लागलो.

एक दीस मायकल आपल्या घराचें काम करतना घरा वयल्यान सकयल पडलो आनी ताचो पांय मोडलो. पांच स म्हयने चलपाक जायना जावन घरांतूच उरलो. आसा तें सोपसर थोडे दीस खालें. ताका दिशिल्लें, जुजे आनी

राम हे दोगूय आपले खबरेक येतले आनी आपणाक पळयतले पूण ते केन्नाच ताचे खबरीकय आयलेनात वा ताका कसलो आदारूय केलो ना. पूण शाम मात ताचे खबरेक गेलो. शामाक पळोवन मायकलाच्या दोळ्यांतल्यान दुकां आयलीं. शामान ताका 'मायकल' म्हूण उलो मारलो. आपणें ताका वच म्हण सांगिल्लें, पूण तो यादीन म्हजे खबरीक आयलो. हें चिंतून आपणाकडल्यान चूक जाली म्हण सांगून मायकल रडपाक लागलो. शामान ताच्या खांदार हात दवरलो. ''तुजेकडेन चूक जाल्या हें म्हाका सांगपाची गरज ना. तुजी चूक तुका कळळी हें आयकून म्हाका बरें दिसलें. सगळे मनीस चुकतात, पूण चूको सुदारपाचो यत्न जो करता ताकाच मनीस म्हणटात. तेन्ना तुंवूय एक मनीस जावचो अशें म्हाका दिसता. तेखातीर मनीसपणाचे भावनेन हांव तुजे खबरेक आयलां.''

मायकलाच्या संबंद पांयांक प्लास्टर घातिल्लो. ताका उबें रावतना दुसऱ्याचो आदार घेवचो पडटालो. बऱ्या दोतोराक मेळटलो म्हणल्यार मायकलाकडेन कांयच नाशिल्लें. ताका पळयतकूच शामाक ताची परिस्थिती कळिल्ली. शामान ताका बऱ्या दोतोराक व्हरून दाखयलो. तो बरो जायसर ताचो सगळो खर्च तांणेंच केलो. बरो जातकच शामान ताका सांगलें, ''मायकल, तुका हांवें तेन्ना खूब समाजायलो, पूण तुवें तेन्ना म्हजें आयकलें ना. गरजेच्या वेळार तुका आदार जाय तेन्ना कोणूच पावलो ना. हें तुका हांवें सांगपाची गरज ना.'' हें आयकून मायकलान आपली मान सकयल घातली. ''खरेंच शाम, हांवें तुजें तेन्ना आयकल्लें जाल्यार आयज हांव तुजे बरोबर आसतलों आशिल्लों. पूण हांव आयच्यान केन्नाच चोरी करचों ना. तुवें म्हाका कसलेंय काम दिल्यार हांव तें करपाक तयार आसां.'' मायकलाचीं हीं उतरां आयकून शामाक बरें दिसलें. ताकाय हेंच जाय आशिल्लें. तांणें रोखडोच ताका आपले कंपनीत कामाक लायलो.

शाम मनातल्यान उमेदींत आशिल्लो. आपणें एका इश्टाक जाग्यार हाडलो.

आनीक दोग उरल्यात. तांकांय हांव कसोय करून जाग्यार हाडटलों म्हणपाचो ताणें निश्चय केल्लो. मायकलानूय ह्या कामाक शामाक साथ दिली. शाम आता ते कंपनीत मॅनेजर जाल्लो. ताणें आपलें पयलीचें घर मोडून व्हडलो बंगलो बांदिल्लो. तो आपल्या आवय - बापायाक आनी बायल - भुरग्यांक घेवन थंय रावतालो.

राम आनी जुजे चोरपाखातीर पयस पयस गांवांनी भोंवताले आनी आठ - आठ दिसांनी आपल्या घरा येताले. त्या दोगांयनी आपलें घरदार बऱ्या बऱ्या वस्तूंनी भरून दवरिल्लें. घरांत पयसोय भरपूर आशिल्लो. पूण एक दीस शॉर्ट सर्कीट जावन रामाचें सगळें घर जळून गेलें. फकत ताचो वेळ बरो म्हूण ही खबर शामाक कळ्ळी आनी ताणें रोखडेच रामाच्या आवय-बापायक आपणागेर हाडून दवरलीं. आठ दिसांनी राम जेन्ना आपणाल्या घरा आयलो तेन्ना ही खबर ताका कळ्ळी. ताका धक्कोच बसलो. तकलेचेर हात मारून राम मोठमोठ्यान रडपाक लागलो. शाम रामाक मेळपाक म्हूण ताच्या घराकडेन गेल्लो. राम थंय रडटा तो ताका दिसलो. शामान ताच्या खांदार हात दवरून सांगलें, ''राम आतां रडून कांयच फायदो ना. आपलें तें आपलें, दुसऱ्याचें केन्नाच आपल्याक मेळना. तुजी आवय - बापूय तातुंल्यान वाचलीं. देवानूच तांकां वाटायलीं. तांकां दोगांकूय हांवें म्हज्या घरांत व्हरून दवरल्यांत.'' हें आयकून रामाक सामकी लज जाली. ताणें शामाच्या पांयांर घालून घेतलें. आनी ''म्हजेकडल्यान चूक जाली. हांव आनी केन्नाच चोरी करचों ना'' म्हूण सांगून रडपाक लागलो. शामाकूय दिसलें, होवूय आपणाच्या फावरार आसासो दिसता. जाता तें बऱ्याक जाता खंय. अशें म्हणत रामाकूय ताणें आपलेच कंपनीत कामाक लायलो.

निमणो जुजे एकलोच उरिल्लो. जुजेक जाग्यार हाडपाक आतां हे तिगूय इश्ट एकठांय जाल्ले. पूण जुजे मात आपले धुंदींत आशिल्लो. ताका कोणाचेंच पडूंक नाशिल्लें. ताका दिसतालें, कितें मेळटा ताचे आनीक वांटे करपाची गरज ना.

सगळें आपल्याकूच मेळटलें. पूण एक दीस ह्या जुजेक चोरी करतना गांवच्या लोकांनी धरलो. कांय लोकांनी रागान ताका भरपूर मारलो. जुजेच्या आवय – बापायक आपलो पूत चोरी करता म्हणून जेन्ना कळ्ळें, तेन्ना तांकां खूब दूख्ख जालें. घरातलें सगळें सामानूय चोरयेचें म्हूण कळटकच तांणी सगळें काडून भायर उडयलें. उपाशी उरल्यार जाता, पूण लोकांच्या कश्टाचें आनी चोरिल्लें खावप सारकें न्हय. जुजेक मार पडिल्ल्यान भायर वळवळटालो. पूण

ताच्या आवय–बापायक मात सुद्धां चुरचुरे दिसले नात. ''खरे म्हणल्यार ही शिक्षा तुका आमी दिवपाची. पूण ती तुकां लोकांनी दिली.'' अशें म्हणून आवय – बापायन ताची वासपूस सुद्धां करपाची सोडली. जेन्ना ही खबर ताच्या तिगांय इश्टांक कळळी तेन्ना ते थंय धांवून आयले. घडिल्ली गजाल लोकांकडल्यान आयकून घेतली आनी त्या लोकांक पांयां पडून ही कागाळ

मिटोवपाक सांगली. तें सगळें मिटले उपरांत त्या लोकांनी आनी ह्या तिगाय इश्टांनी ताकां डॉक्टराकडेन व्हेलो. बरो जाले उपरांत ताणें थंयच्या लोकांची चूक मागली. चोरी करता त्या मनशाक आवय – बापायकडल्यान आनी लोकांकडल्यान कितलो मान मेळटा हेंवूय जुजेक कळ्ळें. आपणाकडेन चूक जाली, आपणाक माफ कर म्हण तिगांय इश्टांक सांगून रडपाक लागलो. तेन्ना मायकल आनी रामान ताका सांगलें, आमच्या चवगांय भितर खरो इश्ट आसा तो शाम. ताका लागून आयज आमी मनीस जावपाक पावले. तिगांनीय शामाक घट्ट वेंग मारली. शामाकूय सगळे इश्ट परत मेळ्ळे. चौगूय इश्ट गांवांत खोशयेन आप–आपल्या कुटूबांसयत सुखान जियेवपाक लागले.

●●●

परिणाम

सुभाष आनी संजय हे दोगूय घट इश्ट आशिल्ले. दोगांयनी आपलें शिक्षण अर्द्याचेर सोडिल्लें. ते गांवभर भोंवताले आनी हार्ची तार्ची फकाणां करीत दीस काडटाले.

सुभाषाच्या घरांत ताचे आवय-बापूय आनी दोग भाव आशिल्ले. पूण संजय मात आवय-बापायचो एकलोच चलो. सुभाषाचो बापूय सरकारी नोकरी करतालो. सुभाष सगळ्यांत व्हडलो. ताचे दोगूय भाव बरे शिकिल्ले. पूण सुभाषान मात आठवेचेरूच स्कूल सोडिल्लें. आपले दोगूय भाव बरे शिकल्यात आनी आपूण शिकूंक ना म्हणपाचें ताका मात्तूय दूख्ख नाशिल्लें. आवय-बापूय मात सदांच चिंततालें. "हाचें फुडे कशें जातलें? दोगूय चले शिकल्यात. तांकां खंय तरी नोकरी मेळटली. पूण हाका कोण नोकरी दितलो? शेत-भात, भाट-बेंस तसलें कितें करतलो म्हणल्यार तसलेंय आमचेकडेन कांयच ना."

आवय-बापूय जायते फावट सुभाषाक सांगतालीं, "जाणा मरे सुभाष, तुजो तो इश्ट संजय, हो आवय-बापायचो एकलोच चलो. ताका शेत-भात, भाट-बेंस खूब आसा आनी बापायनूय खूब जोडलां. तेंवूय ताका एकल्याकूच, पूण आमकां तसलें कांय ना. तेन्ना त्या संजया बरोबर भोंवतना

आपलें फुडें कशें जातलें तें मात्शें चीत.

एक दीस सुभाषालो बापूय टी. व्ही. पळयत बशिल्लेकडेन काळजाच्या आताकान गेलो. घरांत जोडणारो कोण नाशिल्लो. सगळीं खाणारीं. फुडें कशें जातलें हें चितून आवयन हांतरूणच धरलें. बापायली सर्वीस कायद्याप्रमाण व्हडल्या चल्याक मेळटाली. सगळीं सोयरीं व्हडलो चलो कितलो शिकला म्हूण विचारतालीं. आपल्या चल्यान अर्ध्यार स्कूल सोडलां हें आवय-बापायन लजेक लागून कोणाक सांगूक नाशिल्लें आनी असलो प्रसंग आपणाचेर येतलो हेंवूय तिणें केन्ना चिंतूक नाशिल्लें. आयिल्लीं गेल्लीं म्हणटालीं, खटपट केल्यार बापायची सर्वीस व्हडल्याक मेळटली. सगळ्यांचीं असलीं उतरां आयकून सुभाषाक आपले तकलेचेर मळब पडिल्लेवरी जातालें. बापूय सांगून सांगून गेलो. आवयन हांतरूण धरलें. आतां आपणाक कोण सांगपाचो ना आनी सांगूनय फायदो ना हाचें ताका आतां दूख्ख जातालें.

बापायची सर्वीस ताचो फाटलो भाव शिकिल्लो आशिल्ल्यान ताका मेळ्ळी. हें पळोवन सुभाषाक सामकें दूख्ख जालें. तो खूब रडपाक लागलो. तो रडटा तें पळोवन दोगांय भावांक काकूट दिसली. सुभाष, तूं आतां कित्याक रडटा? आजून वेळ वचूंक ना. तूं शिकतलो जाल्यार आमी दोगूय तुज्या फाटल्यान आसात. धाकट्या भावांनी आपणांक समजावप? खरें म्हळ्यार तांकां हांवें समजावपाचें. सुभाष रडत-रडत दोगांय भावांक म्हणपाक लागलो. ''खरेंच हांव त्या संजयाक लागून पिड्ड्यार जालों. तो जाय तशे पयशे मोडटालो म्हूण हांवूंय ताचे फाटल्यान धांवपाक लागलो.

दोगांय भावांनी ताका खूब समजायलो. जालें तें जालें. आमी शिकयतात तुका. आठवेक नापास जाल्यार सुद्धां धावेक बसपाक मेळटा. धावेक पास जातकूच फुडें कॉलेज करपाक मेळटा. घरांत पुस्तकां आसात. आवयक तरी शिकून बरो मनीस जावन दाखय. दोगांय भावांचें आयकून सुभाषान निश्चय केलो. हांव शिकतलोंच आनी म्हज्या पांयांर उबो रावन आवयक दाखयतलों''.

सुभाष घरांत बसून शिकपाक लागलो. दोगूय भाव वेळ मेळटा तेन्ना ताका शिकोवपाक लागले. तो धावी पास जालो. फुडें कॉलेज मेरेन शिकलो यबी बरे कंपनीत नोकरीय मेळ्ळी. सुभाषांत इतली सुदारणा पळोवन आवय सामकी बरी जाली.

एकलो बसतालो तेन्ना सुभाषाक आपल्या बापायची याद जाताली. बापूय म्हाका खूब समजायतालो. पूण हांवें मनार घेतलें ना. आतां म्हज्यांत जाल्लो बदल पळोवपाक म्हजो बापूय ना. हें चिंतून ताका खूब दुख्ख जातालें.

एक दीस वाटेन वतना खूब तेपान ताका आपलो इश्ट संजय दिश्टी पडलो. कोणतरी ताका हाताक धरून व्हरतालो. कितें जालां काय हाका म्हूण सुभाष ताचे म्हऱ्यांत गेलो. पळय जाल्यार त्या संजयाची दशा पळोवपाची नाशिल्ली. ताचे कपडे पिंजिल्ले. केस वाडिल्ले. फकत हाडाचो

सापळो कसो आशिल्लो. तोंडाक सोऱ्याच्यो घाणी येताल्यो. 'संजय' म्हूण उलो मारतकच आवाजाचेरूच संजय ताका वळखलो.

''कितें रें संजय तुजी ही दशा? खंय आशिल्लो रे तूं?'' तो वोगीच रावलो. ताचे बरोबर आशिल्लो ताणे सांगलें. ताची आवय-बापूय गेल्यार आतां एक वर्स जायत आयलें. ताणें आवय-बापायचे भाट-भेस विकलें आनी भरपूर मजा मारली. भरपूर पिवन पिवन एक दीस दुयेंत पडलो. जेवण-खाण चलना जालें. हांव ताचो शेजारी. म्हजो बापूय बरो ना जाल्लो तेन्ना ताच्या आवय-बापायन आमकां सांबाळिल्लें. ताच्या आवय-बापायक लागून हांव आयज मनीस म्हूण उबो आसां. पूण हाचेकडेन इतलें सगळें आसून सुद्धां हाची ही दशा कोणाक सांगतलो?''

''तूं सांगता तें खरेंच, देवान दिलें म्हण जालें ना. तें सांबाळूंक कळपाक जाय.'' अशे म्हणत सुभाषूय चलत रावलो. ●●●

बुदवंत कोळो

एका अटंग्या रानांत एक राकेस रावतालो. त्या रानांत खूब जनावरां आशिल्लीं. राकेस दिसपट्टो एक - एक जनावर मारून खातालो. अशें करतां करतां त्या रानांतलीं जनावरां कमी जायत वचपाक लागलीं. फुडें - फुडें आपलें कशें जातलें? पोटाखातीर खंय - खंय भोवंचें पडटलें काय म्हूण राकेस चितपाक लागलो. गांवांत कितें चल्लां हें पळोवपाची ताका उमळशीक लागली. एक दीस राकेसान कितें केलें, रातचे सगळे लोक न्हिदले उपरांत गांवांत वचपाचें थारायलें. गांवांत कितले लोक रावतांत? कशें रावतात? कितलीं घरां आसात? हाचेर मात्शी नदर मारल्यार बरें. रानांतलीं जनावरां सोपले उपरांत गांवांतलीं मनशां खावपाक मेळटलीं अशें ताका दिसलें. बरे रातीचेर राकेस गांवांत वचपाक भायर सरलो. गांवांतले चडशे लोक काम धंदो करपी आशिल्ले. ताका लागून रातीच्या धा वरांमेरेन चडशे जेवन न्हिदताले.

त्या गांवांत इंदिरा आनी जानू हीं घोव-बायल रावतालीं. इंदिराक भुरगीं चार. चौगांय भुरगीं शाळेंत वतालीं. इंदिरा सकाळीं भुरग्यांक शाळेंत पावयतालें आनी तांकां जेवण करून दवरून घोवावांगडा फॅक्टरींत कामाक वतालें. गांव भितर आशिल्ल्यान बशी खूब कमी आशिल्ल्यो. म्हूण तीं

सदांच रातचीं आठांकबीन घरा पावतालीं. घरा आयले उपरांत भुरग्यांक न्हाणयता, जेवण करता म्हणसर रातचीं इकरा वरां जावन वतालीं आनी न्हिदता म्हणसर रातचीं बारा जाताली. इतलें सगळें करून भुरग्यांक न्हिदयता आसतना सदाच इंदिराक काणयो सांगच्यो पडटाल्यो. भुरग्यांक काणयो आयकुपाची इतली सवय जाल्ली की आवयन काणी सांगली ना जाल्यार तांकां न्हिदूच पडनाशिल्ली. कितलीय रात जावं इंदिराक भुरग्यांक काणी सांगचीच पडटाली.

एके राती सदचे भाशेन इंदिरा रातचें न्हिदताना भुरग्यांक काणी सांगपाक लागलें.

एका रानांत एक राकेस आशिल्लो. तो आपणाक रानांतलो सामको राजाच समजतालो. दिसाक एक-एक जनावर आपल्याक हाडून दिवपाचें काम तांणे कोल्याचेर सोपयलें. तेप्रमाण कोलो त्या राकेसाक दिसाक एक - एक जनावर हाडून दितालो. रानांतलीं सगळीं जनावरां सोपत तर फुडें आमचें कशें जातलें? हें चितून कोल्यान सगळ्या जनावरांची एक बसका घेतली. ते बसकेंत सगळ्यांनी थारायलें कीं सगळ्यांनी एकठांय जावन ह्या रानांक उजो लावप आनी पळून वचप. रानाक उजो पेटलो म्हणटकूच राकेस ह्या रानाबरोबर जळून वतलो. मागीर आमी परत येवप, आसा तशीं झाडां लावन परत रान तयार करप.

राकेस ज्यूस्त त्याच वेळार इंदिराल्या घराच्या आडसाक आशिल्लो. इंदिरान भुरग्यांक सांगिल्ली सगळी काणी त्या राकेसान आयकली. ताका बाबड्याक खंय खबर, इंदिरान सांगल्या ती काणी म्हूण. ताका दिसलें, कोलो सगळ्या जनावरांक घेवन आपणाक मारपाची तयारी करता आसतलो. बरें जालें, हांव गांवांत आयलों म्हूण, हें तरी आयकुपाक मेळ्ळें.

हेवटेन भुरगीं काणी आयकतां-आयकतां न्हिदलीं आनी तांचे बरोबर इंदिरायबी न्हिदलें.

हें इतलें आयकून राकेस आनी गांवांत रावलो ना. तो रानांत वचपाक गेलो. पूण दुसऱ्या दिसा परतूनय राकेसाक गांवांत वच्चें कशें दिसलें. आपणाक मारपाखातीर ह्या कोल्यान आनी कसली युक्ती काडल्या आसतली काय? गांवांत गेल्यारूच फुडलें कितें तें कळटलें. आनीक कोणूच आपणाक सांगपाचो ना हें चिंतून दुसऱ्या दिसा परतून राकेस गांवांत गेलो आनी त्या इंदिराल्या घरा आडसाक वचून उबो रावलो. सदचेप्रमाण इंदिरा भुरग्यांक न्हिदोवपावेळार काणी सांगपाक बसलें. इतल्यान भुरग्यान आवयक विचारलें, 'आई तुवें काल सांगिल्लें न्हय गे राकेसाक मारपाक कोल्यान रानाक उजो घातलो म्हण. 'मागीर रानांत उजो घातलो जाल्यार तो राकेस उजो पळोवन धांवत गांवांत येतलो आनी आमकां सगळ्यांक खातलो मगे.' "ना रे, अशें कांयच जावंचें ना. आता फुडली काणी सांगता ती आयक." अशें म्हणून इंदिरा भुरग्यांक फुडली काणी सांगपाक लागलें.

सगळें रान जळ्ळें म्हणटकूच तो राकेस खंय वतलो? ताका मागीर गांवांत येवचें पडलें ना? पूण तो राकेस गांवांत येता म्हूण गांवच्या लोकांक रोकडेंच कळ्ळें. त्या गांवांत एक बुदवंत आशिल्लो. गांवांत कितेंय घडलें जाल्यार पयलीं लोक त्या बुदवंताक सांगताले. ते प्रमाण सगळ्या लोकांनी वचून त्या बुदवंताक राकेस गांवांत येता ती खबर सांगली.. ते बरोबर त्या बुदवंतान सगळ्या गांवच्या लोकांक एकठांय केले आनी एक व्हडली सभा घेतली. जण एकल्या घरांतल्यांनी इल्लें इल्लें जाळें तयार करपाचें अशें सभेत थारायलें. काणी आयकतां आयकतां एकल्या भुरग्यान मदींच आवयक म्हणलें, 'आई, तें जाळें कित्याक गे?'

आरे, जाळें कित्याक तें सांगतां, आयक.

सगळ्यांनी इल्लें - इल्लें तयार केल्लें जाळें एकठांय करून एक व्हडलें जाळें तयार करपाचें. राकेस गांवांत येता ते वाटेर तें जाळें बांदून दवरपाचें. रातचो राकेस गांवांत आयलो म्हणटकूच त्या जाळ्यांत शिरकतलो. मागीर त्या राकेसाक त्या जाळ्यांत घालून घट्ट बांदपाचें! बुदवंताची ही मांडणी आयकून गांवचे सगळे लोक जाळें तयार करपाक लागले. इंदिरान सांगिल्ली ही सगळी काणी त्या राकेसान आयकली.

'आवयस! गांवांतूय येवपाक वाट ना तर. ...आतां कितें करपाचें? राकेस मनांत म्हणपाक लागलो. तो सामको चितपाक पडलो. सदचेप्रमाण कोलो सावज घेवन राकेसा म्हऱ्यांत आयलो. पूण राकेसाचें लक्ष कोल्याचेर नाशिल्लें. कोल्यानूच राकेसाक हात लावन जागो केलो. तेबरोबर राकेसान आंग काडलें. कोल्याक पळयतूकच ताका सगळो उजो कसो दिसपाक लागलो. ताका तें रानूय नाका आनी तें जेवणय नाका दिसपाक लागलें. चितून चितून राकेस बारीक जावपाक लागलो. रानांतलीं सगळीं जनावरां चितपाक पडलीं. 'ह्या राकेसाक जालां तरी कितें?' दर एकलो कोल्याक विचारपाक लागलो, 'कोलेमाम, तुवें अशें कितें केलें, राकेस दुयेंत पडपासारकें?' राकेस जनावरां

खावन टणटणीत जाल्लो आनी तो आपूण रानांतलो राजा समजतालो. पूण आतां हाची असली कसली दैना जाल्ली? अकस्मात कसलें दुयेंस जालें? कोल्याकूय बाबड्याक कांयच खबर नाशिल्ली. पूण सगळ्या जनावरांक आयकुपाची सामकी उमळशीक लागिल्ली. कोलोय आतां चिंतपाक पडलो. इतल्यांत ताका याद जाली, ह्या दिसांनी राकेस रातच्या बारा वरांचेर गांवांत वतालो. कितेंय तरी गांवांत घडलां आसुंये.

गांवांत कितें घडला तें पळोवन येतां म्हूण सगळ्या जनावरांक सांगून कोलो रातचो गांवांत गेलो. गांवांत सगळेकडेन काळोख. कोणाचो आवाज ना. सगळें थंड. एक-दोन कडेन सुणीं भोकता तो आवाज मात येता आनी ह्या राकेसाक काळखांत कितें दिसलें? एका जाग्यार उबो रावन कोलो परतूनय चिंतपाक लागलो. पूण ताका कांयच सुचना जालें. हांगा उबें रावचे परस गांवांत भितर एक भोंवतड मारून आयल्यार बरें म्हण तो चलपाक लागलो. चलतां चलतां तो इंदिराच्या घराकडेन पावलो. ताका त्या घरांतल्यान उलयता तो आवाज येवपाक लागलो. म्हूण तो त्या घराचे वणटीक तेंकून उबो रावलो. सदचेप्रमाण इंदिरा भुरग्यांक राकेसाची काणी सांगतालें. कोल्याक तें आयकुपाक आयलें. तें आयकून कोलो थंयच उबो रावलो. राकेस मनशाक कसो खातालो, जनावरांक कसो खातालो, मागीर लोकांनी ताका कसो मारलो हेंवूय तांणी आयकलें. कोल्याक दिसलें, घडये राकेसानूय हेंच आयकलां आसतलें. म्हूण कोल्यान इंदिराल्या घराच्या दारार मारलें. दाराचो आवाज आयकून इंदिरान जनेलांतल्यान पळयलें, जाल्यार भायर कोलो उबो आसा. तिणें दार उगडलें. कोल्यान घडिल्ली सगळी गजाल इंदिराक आनी ताच्या घोवाक सांगली. हें आयकून इंदिरान सांगलें, हांव न्हिदतना सदांच भुरग्यांक काणयो सांगतां. पूण तांकां राकेसाच्योच काणयो चड आवडटात म्हूण हांव राकेसाच्यो काणयो तांकां सांगतालें. "पूण व्हनीबाय, तुवें राकेसाच्योच काणयो सांगिल्ल्यो न्हय? मागीर तुवें खंयच्यो

खंयच्यो काणयो भुरग्यांक सांगल्यात त्यो म्हाका मातश्यो सांगशी?

'आरे, कोलेमाम हांवें भुरग्यांक ह्या दिसांनी कितल्योशाच काणयो सांगल्यात, पूण तुका तातुंतली खंयची म्हण काणी सांगू?'

'हय तेंवूय खरें गे तुजें. पूण राकेसाक कशे तरेन मारतात हेसंबंदान तुवें काणी सांगल्या आसतलीच न्हय?' इंदिराल्या भुरग्यांनूच आवयक याद करून दिली.

''आई ती सांग गे, राकेसाक मारपाखातीर रानाक उजो लायतात ती,'' तेन्ना इंदिराच्या लक्षांत आयलें. रानाक उजो घालून आनी गांवांत येतकच जाळें घालून राकेसाक मारपाक कशी युक्ती काडली ही सगळी काणी इंदिरान त्या कोल्याक सांगली. ही काणी आयकतकूच कोल्याच्या लक्षात आयलें, राकेसाचेर जाल्लो परिणाम ह्याच काणयाचो आसूं येता. पूण ही गजाल मात राकेसाक सांगपाची ना. आमी राकेसाक मारतले जाल्यार खऱ्यानीच इंदिरान सांगिल्ल्या काणयाचोच उपयोग करप अशें कोल्यान थारायलें आनी इंदिराचे

आनी ताच्या भुरग्यांचे उपकार मानून कोलो रानांत वचपाक गेलो.

रानांतलीं सगळीं जनावरां कोल्याची वाट पळयतालीं. कोलो कसली बातमी हाडटलो काय? दर एकलो आपले परीन विचार करतालो. कोलो रानांत पावतकूच सगळीं जनांवरां कोल्या म्हऱ्यांत एकठांय जालीं. कोल्यान गांवांत घडिल्ली सगळी गजाल आपल्या सगळ्या इश्टांक सांगली. हें आयकून सगळेजाण खोशयेन कोल्याक घेवन नाचपाक लागले.

दुसऱ्या दिसा उमेदीन सगळीं जनावरां राकेसा म्हऱ्यांत गेलीं आनी राकेसाक आयकुपाक येवपाक जाय म्हूण मोट्यान 'उजो... उजो' म्हणपाक लागलीं. उजो म्हणना बरोबर राकेसाचें काळीज सामकें धडधडपाक लागलें. गांवांत आयकलां तें सारकेंच अशें राकेसाक दिसलें. ताच्या दोळ्यांमुखार सगळो उजोच दिसपाक लागलो. जेवण – खाण कांयच चलना जालें. फकत न्हिदिल्लेकडेन 'रानांत उजो आनी गांवांत जाळें' अशें बडबडपाक लागलो. आनी एक दीस राकेसान आपलो प्राण सोडलो.

इंदिरान सांगिल्ले काणयेक लागून आनी कोल्याच्या बुदवंतपणाक लागून रानांतल्या सगळ्या जनावरांचो जीव वाचलो.



एकवट

एका रानांत दोन राकेस रावताले. एक व्हडलो राकेस आनी एक धाकलो राकेस. पूण दोगूय राकेस आपणाक 'रानातले राजा' समजताले. राकेसांक लागून गांवचे लोक रानांत वचपाक भियेताले. रानांतलीं जनावरां लेगीत भियेवन दीस काडटालीं. रानांत जनावरां खूब आशिल्लीं. ताकालागून कितलीं जनावरां राकेसान खावन उणीं जाल्यांत हाचो अदमास सारको लागनाशिल्लो. असो कितलो तेंप तरी आमी भियेवन दीस काडप म्हूण जण एकलो चिततालो.

एक दीस त्या रानांतलीं सगळीं जनावरां एकठांय जालीं. तांचेभितर एक व्हडली भासाभास जाली आनी उपरांत सगळ्यांनी कोल्याक आपलो मुखेली केलो. गांवांत आनी रानांत कितें घडटा तें सांगपाचें काम तांणी कोल्याचेर सोपयलें. कोलो कितें सांगता तें सगळ्यांक कळपाखातीर सुमानांतल्यान एक फावट सगळ्या जनावरांनी एकठांय मेळपाचें थारायलें. ते प्रमाण थारायल्ल्या जाग्यार आयतारा दिसा रानांतलीं सगळीं जनावरां एकठांय जातालीं. तेन्ना कोलो आयिल्ल्या सगळ्या जनावरांची हाजेरी घेतालो. ताका लागून कोण आयल्यात आनी कोण येवंक ना हें कळटालें. कितलीं जनावरां ना जाल्यात हाचोय हिशोब मेळटालो.

एका सुमानात उण्यात उणीं पांच-स तरी जनावरां ना जातालीं. हें कळटकच सगळ्या, जनांवरांक हुस्को जावपाक लागलो. इतल्यांत अस्वलान म्हणलें, ''जनांवरां कशीं ना जातात तुमकां खबर आसा? ह्या जनावरांक राकेस खाता.'' ''तुका कशें कळळें राकेसूच जनावरां खाता म्हूण?'' कोल्यान अस्वलाक विचारलें. ''आतांच हांव राकेसाल्या तोंडांतल्यान सुटून आयलां. त्याच राकेसान म्हाका सांगलां, तूं आयज सुटलो म्हूण उमेदीन नाचूं नाका. अशें करून सगळ्या जनावरांक हांव खातलों. तुकां आनी कसो सोडटलो?'' अस्वलान घडिल्ली सगळी गजाल सांगतकूच सगळीं जनावरां चितपाक लागलीं. ''अशे तरेन दोगूय राकेस जनावरांक खावपाक लागले जाल्यार फुडें फुडें रानांतलीं सगळीं जनावरां नाच्च जातलीं. ताचे पयलीं हाचेर कितेंय तरी उपाय काडपाक जाय म्हूण दर आयताराक सगळीं जनावरां एकठांय जातालीं. आनी आपआपले विचार मांडटालीं. एका आयतारा गांवच्या लोकांनी ह्या सगळ्या जनावरांक रानांत आयिल्लेकडेन

पळयलीं. कितेंय तरी ह्या रानांत घडलां आसुंये. कितें जालां कांय हांकां? ‘तेवूय चितपाक पडले. पूण कोणाकूच त्या जनावरांफुडें वचपाचें धाडस जायना जालें. एक – एक जनांवर हात – पांय हालोवन आपल्या स्टायलींन उलयताले. सगळ्यांत चड चितप कोल्याचेर पडलां म्हूण कळटालें. रानांत कितें जालां तें कळटलें जाल्यार कोल्याक पयलीं मेळूंक जाय म्हणपाचें तांच्यानी थारायलें. इतल्यांत वागान कोल्याक म्हणलें, ‘‘गांवची खबर कितें हाडल्या कोलेमाम?’’ ‘कितें सांगू, गांवचो लोक रानांत येवपाक सामको भियेला. कोणूच रानांत वचपाचें नांव काडिना. रानांत वचपाचेंच आसल्यार गांवचो सगळो लोक एकठांय जावन वता. केन्नाच एकलो वा दोट्टी रानांत वचना. तांचेभितर एकल्याक तांणी मुखेली केला.’’ सगळीं जनावरां कोलो कितें सांगता तें आयकुपाक लागलीं.

‘‘हय,? तशें जाल्यार बरें आसा, आतां आमकां आयडिया मेळ्ळी.’’ अशें म्हणत वाग आनी अस्वल उबीं रावलीं.

‘‘कसली आयडिया मेळ्ळी?’’ कोल्यान विचारलें.

‘‘आरे कोलेमाम, तूं पयलीं गांवांत वच आनी गांवच्या त्या मुखेल्याक मेळ. आमी ह्या राकेसाक मारपाक जाय जाल्यार पयलीं गांवच्या लोकांकय एकठांय करचें पडटलें. ते आमकां ना म्हणपाचे नात. पूण हें काम मात तुवेंच करचें पडटलें.’’ अस्वलान सांगलें.

‘‘तशें जाल्यार बरें आसा. हांव आयजूच गांवांत वतां आनी गांवच्या मुखेल्याक मेळटां.’’ कोल्यान हयकार दिलो. पूण हें बेगीन जावपाक जाय कोलेमाम. फुडल्या आयताराक आमचे बसकेंत गांवच्या लोकांकूय आपोवया आनी फुडें कितें करपाचें तें थारावया.’ हें सगळें उलोवप जाले उपरांत कोल्यान आयची बसका सोंपली म्हण जाहीर केलें. सगळीं जनावरां आप–आपले वाटेन घरा गेली.

गांवच्या सगळ्या लोकांनी जनावरांचे बसकेचीं भाशणां आयकलीं

आनी रानांत लाकडां कातरपाची तीं विसरून गेलीं. पूण लाकडांपरस हें कितें तांच्यानी आयकल्ले तें खूब मोलाचें आशिल्लें. खरेंच आमी मनशां आसून लेगीत असले विचार आमचे तकलेंत येवंक ना. पूण जनावरांनी मात ह्या राकेसाक बूद्द शिकोवपाची थारायल्या अशें जण एकलो म्हणपाक लागलो. ''खरेंच आमी कितें तरी करपाकूच जाय. तांचे खातीरूच न्हय तर आमचेखातीर सुद्धां फायद्याचेंच आसा.'' ह्या जनावरांक आमचो सुद्धां हुस्को आसा म्हूण तांच्या भाशणातल्यान कळटालें. सगळ्यांनी त्या मुखेल्याक सांगलें, कोलो तुका मेळ्ळे उपरांत कितें सांगता तें सगळें आयकून घे आनी आमी सगळे तुमचे बसकेत येवपाक तयार आसात म्हूण सांग.'' अशें त्या मुखेल्याक सांगून सगळो गांवचो लोक आप-आपल्या घरा गेलो.

बऽरे रातीचेर कोलो गांवच्या मुखेल्याक मेळपाक आयलो. मुखेली कोल्याची वाट पळयत दाराचेरूच बशिल्लो. कोल्याचो आवाज आयकून मुखेल्यान रोकडोच कोल्याक भितर आपयलो. कोल्यान ताका रानांतली सगळी खबर सांगली. सांगात्यांनी सांगिल्लेप्रमाण मुखेल्यान सगळें पयलीं आयकून घेतलें आनी आयताराक तुमचे बसकेक सगळ्या गांवच्या लोकाक आपूण घेवन येतां म्हणपाचें उतर दिलें. हें सगळें आयकून कोलो उमेदीन रानांत गेलो.

कोलो आयिल्ल्याची खबर मुखेल्यान गांवच्या सगळ्या लोकांक सांगली. हें आयकून सगळ्या गांवच्या लोकांक उमेद जाली. थारायिल्लेप्रमाण रानांतली सगळीं जनावरां आनी गांवचो लोक आयतारा दिसा रानांत एकठांय जालो. राकेसाक कशे तरेन मारपाचें हाचेर दोगांयभितर उलोवप जालें आनी निमणें रानात एक व्हडलो फोंड मारपाचें काम गांवच्या लोकांक दिलें. झाडाच्यो बारीक - बारीक ताळयो आनी सुकिल्ल्या झाडांचीं पानां हाडपाचें काम जनावरांचेर दिलें. खांदयो आनी पानां एकठांय करून त्या फोंडकुलाचेर धाकपाच्यो. मदीं एक कदेल दवरपाचें आनी त्या कदेलाचेर

राकेसाक बसोवपाचें काम कोल्याचेर सोपयलें.

एकलो मर्दीच म्हणपाक लागलो, 'राकेसाक कदेलार बसोवप? जाल्यार ताका मारप कसो? ''आरे, पोंदां व्हडलें फोंडकूल आनी वेल्यान पानां घालून धापलां म्हूण राकेसाक कशें कळटलें? त्या कदेलार बसपाक वता म्हणसर तो सकल फोंडकुलांत पडटलो. मागीर सगळ्यांनी बेगी बेगीन फातर आनी माती घालून तें फोंडकूल पुरोवपाचें. म्हण्टकूच तो तातूंत घुस्मटून मरतलो.''

हय... हय हें सारकें अशें म्हणत सगळ्यांनी आप-आपलें नेमून दिल्लें काम करपाक सुरवात केली.

गांवच्या लोकांनी एक व्हडलें फोंडकूल मारलें. वाग, हती, रानदुकर, अस्वल ह्या सगळ्यांनी वेवस्थीत पानां मांडून फोंडकूल वयल्यान सारकें धापलें. फोली लावन बरें सजयिल्लें एक कदेल मर्दी दवरलें. दोगूय राकेसांक त्या फोंडकुलाकडेन हाडपाचें काम कोल्याचेर सोपयिल्लें. ते प्रमाण कोलो व्हडल्या राकेसाकडेन धांवत वचून खरशेत उबो रावलो. राकेसान कोल्याक विचारलें. ''आरे कोलेमाम, तूं खरशेता कित्याक?''

''कितें सांगू? रानांत व्हडली सभा भरल्या. गांवचो लोक आनी रानांतलीं सगळीं जनावरां आयल्यांत. धाकलो राकेसूय थंय आयला. तो राकेस आपूण ह्या रानांतलो राजा म्हणटा. पूण आमी तें मानूंक तयार नात. कित्याक जाणां..? आमकां ह्या रानांतलो राजा तुकाच करपाक जाय. पूण गांवचो लोक मात धाकल्या राकेसावटेन आसात अशें दिसता. तेन्ना हांव तुका थंय व्हरपाक आयलां.'' कोल्यान खरशेत सांगले. हें आयकून राकेस रागान थरथरपाक लागलो. खंय आसा तो राकेस? असें म्हणत व्हडलो राकेस भायर सरलो. धाकल्या राकेसाकय वचून कोल्यान हेंच सांगलें. तिडकीन धाकलोय राकेस रागान कोल्याबरोबर येवपाक भायर सरलो. कोल्यान तांकां थारायल्ल्या जाग्याकडेन व्हेलें. थंय पळयत जाल्यार दोगूय राकेसांक कोल्यान सांगले तें खरेंच दिसलें. रानांतलीं सगळीं जनावरां आनी गांवचो लोक एकठांय

जाल्यात. मदीं एक कदेल बरें न्हेसोवन दवरलां तें दिश्टी पडलें.

सगळीं जनावरां राकेस येता तें पळोवन मोट्ट्यान म्हणपाक लागलीं, ‘व्हडलो राकेसूच रानांतलो राजा.’’ तेन्ना गांवचे लोकूय म्हणपाक लागले ‘ना, कशेंच जावंचें ना. धाकलो राकेसूच रानाचो राजा.’ हे आयकून दोगूय राकेस झगडपाक लागले. हांचें झगडें वाडत गेलें ते पळोवन गांवच्या लोकांनी दोगांकूय थंड केलें. मागीर कोल्यान दोगांकूय समजावन सांगलें, ‘‘कोण पयलीं त्या कदेलाचेर वचून बसतलो तो रानाचो राजा जातलो आनी ताची

सेवा करपाचें काम दुसऱ्या राकेसाचें आसतलें. तशेंच आमी सगळीं जाय तेन्ना तुमचे सेवेक हाजीर रावतलीं. हें आयकून दोगूय सामके उमेदीन भरले. ‘‘तशें जाल्यार तुमी सांगितल्लेप्रमाण करपाक आमी तयार आसात,’’ अशें दोगूय राकेस म्हणपाक लागले आनी कोल्यान सांगिले प्रमाण एका जाग्यार वचून सारखे उबे रावले. उपरांत गांवच्या मुखेल्यान मोट्ट्यान शिळोणी

मारली. तेन्ना दोगूय राकेस धांवपाक लागले. मात त्या कदेलाकडेन पावचे पयलींच दोगूय फोंडकुलांत पडले. तेबरोबर सगळ्या जनावरांनी आनी गांवच्या लोकांनी फोडकुलांत फातर आनी माती उडोवपाक सुरवात केली. ते बरोबर दोगूय राकेस किंळांच्यो मारुक लागले आनी फोंडकुलांत फातरापोंदां आनी मातयेपोंदा चिड्डून घुस्मटून मेले.

सगळ्या जनावरांच्या आनी गांवच्या लोकांच्या एकवटाक लागून सगळ्यांचो जीव वाचलो म्हूण सगळे उमेदीन नाचपाक लागले.

●●●

भाटकार

एक आशिल्लो भाटकार. सभावान दानी. पूण भाटकाराची बायल मात सामकी चामटी. आपली चामडी दितली, पूण दमडी दिवची ना असो तिचो सभाव. तिच्या ह्या सभावाक लागून तांगेर कोणूच चार दिसांवयर कामाक रावनाशिल्लो. काम करतल्याक ती पांच मिनटां बसपाक दिनाशिल्ली आनी पोटभर जेवणूय वाडिनाशिल्ली. दीसभर त्या कामगाराच्या फाटल्यान किर... किर करीत रावताली. भाटकार मात सभावान बरो आशिल्लो. आपली बायल करता तें ताका आवडनाशिल्लें. तो आपले बायलेक सदांच सांगतालो, 'आगो काम करतल्याक पोटभर वाडपाक जाय. तांचेकडेन दोन उतरां बरीं उलोवपाक जाय. तेवूय आमचेभाशेनूच मनीस न्हय? पोटाखातीर ते दुसऱ्यागेर काम करतात.' हें आयकतकच ती म्हणटाली, 'पोटभर जेवल्यार ते काम कशें करतलें? तांकां आळस येतलो. आनी कामां करपाचें सोडून ते झेमो काडूक लागतलें.' हें आयकून भाटकार ओगी रावतालो. मागीर मनांत म्हणटालो, 'हिका सांगचेपरस ओगी राविल्लेंच बरें. पूण ते कामगार मात भाटकाराक म्हणटाले, 'भाटकारा, आमकां पोटाक कमी वाडल्यार जाता.' पूण भाटकान्नीची दिसभर किर... किर आमचेकडेन आयकुपाक जायना.'' अशे तरेन दोन–चार दीस काम करून ते कामगार काम सोडून

वताले.

भाटकारूय कामगार सोदून सोदून वाजेल्लो. एक दीस एक मनीस दनपारच्या वेळार नाल्ल पाडपाचे आसात कांय म्हूण विचारपाक ह्या भाटकारागेर आयलो. भाटकारान आनी वेळ केलो ना. ताका भितर आपयलो. नाल्ल पाडपाचे आसात दिसता म्हण तोवूय भितर आयलो. भाटकारान ताका विचारलें, 'तूं खंयचो? तुजें नांव कितें?'

'म्हजें नांव रामदास. हांव हांगां लागींच रावतां'.

'फकत नाल्ल पाडपाचेंच काम करता? आनीक दुसरें कसलेंच काम करिना?'

'ना, हांव आनी कसलेंच काम करिना, फकत नाल्ल पाडपाचेंच काम करतां'. रामदासान ताका सांगलें.

'तशें जाल्यार नाल्ल पाडपाचे आसात तेन्ना सांगता तुका. दुसरें कसलेंय काम करतलो जाल्यार तूं आयजसाकूनच आमगेर राव. विचार कर आनी सांग. फाल्यां सुद्धां येवन सांगल्यार जाता'. अशें सांगून भाटकार भितर

गेलो. आनी रामदास आपल्या घरा गेलो.

रामदासाक बायल-भुरगीं आशिल्लीं. ताचे बायलेचें नांव विमलाबाय. तांकां चार चलयो आशिल्ल्यो. एकल्याचें नांव शिल्पा, दुसऱ्याचें नांव सुलभा, तिसऱ्याचें शोभा आनी चवथ्याचें नांव शोभिता. विमलाबायन चारूय चलयांची नांवां 'श' अक्षरानूच दवरिल्लीं. ताका लागून नांवांय लक्षांत बरीं उरतालीं. रामदास गांवांनी भोवन दिसाक धा-पंदरा माडांचेर चडटालो. एका माडार चडल्यार ताका एक नाल्ल मेळटालो. दिसाक धा-पंदरा नाल्ल मेळटालेच. हे नाल्ल विकून तो आपल्या बायल-भुरग्यांक पोसतालो. आतां भुरगींय व्हडलीं जाल्ल्यान जोडटा तें तांकां पावनाशिल्लें. रामदासूय आपल्या बायल-भुरग्यांक कोणागेर कामाक धाडिनाशिल्लो. कोणागेर वचून मागपाची तांकां संवंय नाशिल्ली. आपलेकडेन जाता तेमेरन आपूण करतलों, ना तेन्ना पळोवया अशें ताका दिसतालें.

एक दीस अशेंच बशिल्लेकडेन रामदासान आपले बायलेक म्हणलें, 'जाणा मुगो, भाटकारान म्हाका आपणागेर कामाक रावता काय म्हूण विचारिल्लें. पूण हांवें ताका ना म्हणलें, फकत नाल्ल काडपाचेंच काम करतां म्हणलें.' हें आयकून विमलाबायन ताका म्हणलें, 'तुमी काम करपाक जमना कित्याक म्हणलें?' माडार म्हूण कितलो तेंप चडप? आतां तुमचींय वर्सां जाल्यांत. सदांच म्हूण माडार चडप जाता?

'हय, म्हाकाय तशेंच दिसतालें. रामदासानूय उलोवन दाखयलें.

'मागीर तुमी फाल्यांच वचात, भाटकाराचो सभाव कसो? काम कसलें? बारीकसाणेन निरखून येयात आनी तुमकां आवडलें जाल्यारूच 'हय' म्हणात.'

'तशें जाल्यार फाल्यांच वतां हांव' अशें सांगून दुसऱ्या दिसा रामदास त्या भाटकारागेर गेलो. भाटकारान आपले बायलेक पयलींच सांगून दवरिल्लें, 'हे फावट तुवें जर कामगारांक त्रास केले जाल्यार भाटांतलें सगळें काम तुकाच

करचें पडटलें. हांव आनी कामगार सोदपाचों ना. 'हें आयकून भाटकान्न मातशी भियेली. रामदास परतून आयला तें पळोवन भाटकारान ताका भितर आपयलो, 'कामाक रावपाक आयला मरे तूं?' भाटकारान रामदासाक विचारलें.

'हय, भाटकारा, हेच खातीर आयलां. हांवें ही गजाल म्हजे बायलेक सांगली. तिणें म्हाका काम कितें? घरातलीं मनशां कशीं तें पयलीं पळय आनी बरें दिसल्यार कामाक राव म्हणलां'. हें आयकून भाटकाराली बायल बेगी-बेगीन भायर आयली. तिणें रामदासाक बसपाक कदेल दिलें. काम कसलें, आनी कितें तें सगळें हांव सांगता तुका अशें सांगून ताका च्या हाडून दिली. मागीर ताका व्हरून आपलें भाट दाखयलें. 'हें दिसता तें सगळें भाट आमचेंच. भाट निवळ करप, नाल्ल सुकल्यात ते काडप, झाडांक उदक घालप हें सगळें तुका करचें पडटलें. जेवण-खाण दिवन तुका आमी दिसाक पन्नास रुपया दितलीं आनी नाल्ल पाडटा तेन्ना तुका पंचवीस नाल्लूय दितलीं म्हणपाचें भाटकारान ताका सांगलें. तुजें काम पळोवन मागीर तुका पगार वाडयतां म्हण सांगलें. हें आयकून रामदास तांगेर कामाक रावपाक तयार जालो.

रामदास भाटकारालें काम मन लावन करतालो. रामदासालें चली आता व्हडलें जाल्लें. विमलाबायक आतां हुस्को जावपाक लागिल्लो. एक दीस विमलाबायन आपल्या घोवाक म्हणलें, 'आतां आमचें शिल्पा व्हडलें जालां. शिल्पाक खंय भुरगो आसा जाल्यार पळय म्हण भाटकाराकूच सांग.' एक दीस संद पळोवन रामदासान आपले चलयेच्या लग्नाविशीं भाटकारांक सांगलें. भाटकारानूय ताचें उतर मनार घेतलें आनी रोखडीच ताचे चलयेक सोयरिगत केली. विमलाबाय सामकी खोशी जाली. चलयेचें लग्न म्हण रामदासान सगळ्या गांवांत जेवण घालपाचें थारायलें. भाटकारानूय ताका थोडे नाल्ल, तांदूळ आनी थोडे पयशेय दिल्ले. विमलाबाय

आतां चितपाक पडली. रामदासान पयलेंच लग्न म्हूण उमेदीन सगळ्या गांवांत जेवण दिवपाचें थारायलां. आतां हें सगळें रांदतलीं कित्यांत? इतकीं व्हडलीं आयदना खंयच्यान हाडटलीं? कोणागेर म्हूण मागतलीं? लग्नाक आयिल्ल्या लोकांक जेवण दिवप म्हणल्यार एक व्हडलें पूण्य, आपणें केलां अशें रामदासाक दिसतालें. चितलें चितलें आनी ती भाटकान्नीकडेन आयदनां मागपाक गेली. भाटकान्न सामकी चामटी, तिका हय म्हणप काय ना म्हणप तें कळना जालें. आपणें जर ना म्हणलें आनी रामदास कामाक येवपाचो बंद जालो जाल्यार आपणें काम करचें पडटलें. ह्या भयानूच तिणें विमलाबायक आयदनां व्हर म्हूण सांगलें. व्हरतना तिका मुद्दाम शिटकायली. 'पळय, बरें करून व्हर आं! रांदतना सांबाळून, आपटून चॅप बी पडत.' 'गरजेवंताक खंय अक्कल ना, अशें म्हणत आनी येदेंशें तोंड करून विमलाबाय भाटकान्नीलीं आयदनां घेवन गेली.

रांदपाच्या जाग्यार बरो माटोव बी घातिल्लो. रांदपाक वाड्यावयल्यो सगळ्यो बायलो आयिल्ल्यो. रांदपाच्या वेळार ज्यूस्त भाटकान्न बरें न्हेसून बी रामदासागेर गेली. भाटकान्न आयल्या तें पळोवन सगळीं अजापीत जालीं. आवयस ऽऽ! भाटकान्न रामदासागेर रांदपाक आयल्या काय? कसलेंय कार्य आसूं तीं कोणागेरूय वचना आनी रामदासागेरशी आयल्या म्हूण सगळ्यो बायलो एकमेकाकडेन पळोवन उलोवंक लागल्यो. विमलाबायन भाटकान्नीक बसपाक एक स्टूल हाडून दिलें. भाटकान्न बसली.

विमलाबायक दिसलें, रामदास तांगेर काम करता न्हय, म्हूण आपलेपणान भाटकान्न आयल्या आसतली. एके बायलेन शीत करपाक एक व्हडलो तोप चुलीर दवरलो. भाटकान्नीन मोट्यान आवाज केलो, 'चुलीर सवकास तोप दवर, तोपाक चॅप पडत.' दुसरे एके बायलेन खतखतें करपाक तोपांत फोडी घालपाक लागली. भाटकान्नीन परतून मोट्यान आवाज केलो, 'फोडी हळू घाल, तोपाक चॅप पडत.' इतल्यांत तिका चुलींतलो उजो दिश्टी पडलो.

"आवयस! चुलींत केदो व्हडलो उजो केला! म्हजो तोप करपतलो." म्हूण मोठ्ठ्यान आड्डुपाक लागली. हें पळोवन विमलाबायक सामको घाम सुटलो. हीं आयदनां कोणालीं हाडल्यांत हें आनी तिका लोकांक सांगचें पडलें ना. सगळ्यो रांदपाक आयिल्ल्यो बायलो आयदनां म्हऱ्यांत वचपाक भियेवपाक लागल्यो. विमलाबायक सामकी लज जाली. नाक आदळून मरूंक पुरो जालें. लग्नूय नाका आनी तें जेवणूय नाका अशें तिका जालें.

कशेय भशेन एकदांचें लग्नकार्य जालें. तिणें आपल्या घोवाक ही गजाल सांगली. कसलेंय कार्य आसूं, आपल्याकडेन जाता तशें करचें. बेश्टेंच जेवण घालतां म्हण सांगून हांवें म्हजी लज काडून घेतली. म्हणटात न्हय आशिल्ल्यागेर केन्नाच मागचें न्हय. नाशिल्ल्यागेर तरी मागचें. आसल्यार तीं बऱ्या मनान तरी दीत!

●●●

कामाचें मोल

एका गांवांत एक बायल रावताली. तिचें नांव आशिल्लें जानकी. तिचो घोव तिच्या तरणेपणांत भायर पडिल्लो. तिका दोन ल्हान भुरगीं आशिल्लीं. ह्या दोनूय भुरग्यांची जबाबदारी जानकीचेर पडिल्ली. जानकीक घर-दार आशिल्लें. इल्लो जागोय आशिल्लो. त्या जाग्याचेर ती तांबडी भाजी, भेंडे, वांयगीं अशी जायती भाजी रोयताली आनी ह्यो भाज्यो घरा-घरांनी व्हरून विकताली. इतलेंच न्हय तर गांवांत कोणूय बरो नासूं वा कोणागेर कसलेंय कार्य आसूं गांवचो लोक तिकाच आपयताले. हे खातीर गांवचो लोक तिका 'जानकीबाय' म्हूण वळखताले.

जानकीबायलो चलो रितेश ग्रॅज्युयेट जालो. जानकीबाय सदांच म्हणटाली, आपणें भुरग्यांक खूब कश्ट करून शिकयलां ताचे फळ मेळळयार पुरो. 'हें आयकून रितेश आवयक म्हणटालो, 'आई, म्हजे नोकरेखातीर तूं हुस्को करू नाका आं. नोकरी मेळना जाल्यार कसलेंय काम करतलों', पूण बेकार रावचों ना? आवयक हें आयकून जिवाक बरें दिसतालें.

ह्या रितेशालो उमेश नांवांचो एक इश्ट आशिल्लो. उमेशाल्या बापायचे केंस मारपाचें एक दुकान आशिल्लें. त्या दुकानांत उमेशालो बापूय केंस मारतालो. बापायचें काम पळोवन उमेशय केंस मारपाक शिकिल्लो आनी तोवूय

बापायबरोबर रावन केंस मारतालो. पयशांची कसलीय अडचण आसल्यार उमेश रितेशाक पावतालो. रितेश बेकार आसत जाल्यार चडसो उमेशाच्याच दुकानांत आसतालो. केंस मारपाची थंय आनीक दुकानां नाशिल्लीं. ताका लागून त्या दुकानांत खूब गर्दी आसताली. बापायक आनी पुताक केन्ना केन्ना जेवपाकूय वेळ मेळनाशिल्लो. दुकानांत बसतकच रितेशाक जायते फावट आपणेंय केंस मारपाचें काम केल्यार बरें आशिल्लें अशें दिसतालें.

एक दीस उमेशानूच रितेशाक सांगलें, 'रितेश, सांगता म्हूण राग धरूं नाका आं, तुमच्या घरामुखार इल्लो जागो आसा न्हय रे? तूं थंय ल्हानशीच एक शेड कशी काड. आमच्या दुकानांत कितली गर्दी आसा तें तुवें पळयलांच आसतलें. हांगासर आनीक दुकानांय नात, तेन्ना तुवूंय केंस मारपाचें काम कर, हांव शिकयता तुका. नोकरी मेळटासर हें काम कर'. हें आयकून रितेश उमेदीन भरलो. ताकाय दिसलें, हो आपल्याच मनांतलें उलयलो म्हूण. ताका तें काम मनांतल्यान आवडटालें. पूण आवयक सांगपाक ताका धाडस जायना आशिल्लें. आवयक आतां कशें सांगप? ती आयकून कितें म्हणटली? अशे दोन दीस ताणें चितूनच काडले. उमेशान सांगिल्लीं उतरां ताचे तकलेंत घुंवतालीं. जेवणाचेरूय ताचें लक्ष लागना जालें. ताच्यांत जाल्लो बदल पळोवन आवयनूच ताका विचारलें, 'रितेश, तूं वोगी चिंतिल्लेभशेन रावता कित्याक रे, कितें जालां तुजें? कोणें कितें म्हणलें बी तुका?

"ना गे,!"

"पूण तुका पळयतकूच तुजें कितें तरी जालां अशें दिसता. तूं, कितें जालां तें सांग तरी."

आवयन परतून परतून विचारतकच ताणें सांगलें, "जाणा मगे आई, आमच्या दारामुखार इल्लो जागो आसा न्हय, थंय हांव इल्लीशी शेड बांदपाक करतालों."

'कित्याक रे बाबा?"

''म्हजो इश्ट उमेश म्हाका म्हणटालो, आपणासारको तूंय लोकांचे केंस मार म्हण. तांणें म्हाका मदत करता म्हणलां. नोकरी मेळटकच हांव तें सोडटा गे. तेखातीर हांव चित्तालों. लोक म्हाका केंस मारता म्हूण हांसतले हें जाणा हांव. पूण म्हजेखातीर तुमकांय आयकुचें पडटलें न्हय गे? हांव कितें करू तेंच म्हाका कळना.''

आरे, रितेश, केंस अमक्यानूच मारपाक जाय, कपडे अमक्यानूच शिंवपाक जाय. घरां अमक्यानूच बांदपाक जाय अशें कोणें सांगलां? कोणेंय कसलेंय काम केलें जाल्यार तें निमाणें पोटाखातीरूच न्हय? आमकां लोक

हांसपाक तूं कितें चोरी करता तर? म्हाका जाल्यार हें आयकून खूब बरें दिसलें.

खरें म्हणल्यार आपल्याक लोक कितें म्हणटले ताचें ताका पडूं नाशिल्लें. आवय कितें म्हणटली हेखातीरूच तो फाटीफुडें जातालो. आवयलीं उतरां आयकून रितेश सामको खोशी जालो. धांवत - धांवत वचून ताणें रोकडीच ही गजाल उमेशाक सांगली. उमेशान आनीक वेळ केलो ना, रोकडींच ताका एक ल्हानशीच शेड बांदून दिली. बसपाक खुर्ची, कांय थोडें गरजेपुरतें सामानूय दिलें. केंस कशे मारप, केंसाच्यो कांय स्टायली अश्यो कांय थोड्यो गजाली उमेशान ताका शिकयल्यो आनी हें काम रितेश शिकलोय बी. ताचे बरोबरचे इश्ट मात ताका हांसताले, ताचीं फकाणां मारताले. ''आरे, रितेश तूं म्हालो केन्नाच्यान जालो? केंस मारपाचें ट्रेनींग कोणें दिलें रे तुका? उमेशान कांय कितें रे, अशें म्हणून मोठ्ठ्यान हांसताले. रितेश हें सगळें आयकून आयकनाजाल्ले भशेन करतालो. कांय इश्ट मोटरसायकल घेवन ताका व्हरपाक येताले. ''आरे रितेश, हे भोंवपाचे दीस मरे! यो-यो फाटल्यान बस.'' अशें म्हणटाले. पूण रितेशान केन्नाच तांचेर लक्ष दिलें ना.

आपलें काम तो मन लावन करतालो. ताका गिरायकूय भरपूर आसतालें. आयताराच्या दिसा मात ताका जेवपाक सुद्धां वेळ मेळनाशिल्लो. हातांत चार पयशे जातकच तांणें ती शेड मोडून बरें व्हडलें दुकान घातलें. नवें सामानूय घेतलें. कामाक दोन मनीस दवरले. घर-दार सगळें जाग्यार पडटगीर बरो भुरगो पळोवन आपल्या धाकट्या भयणीचें लग्नूय करून दिलें.

घरांत आता दिसभर जानकीमावशी एकलीच उरताली. आपल्याकडेन आता जायना हें निमित्त दवरून बरी चली पळोवन जानकीमावशेन रितेशाचें लग्न केलें. आपणाक हांसतात ते सगळे इश्ट बेकार भोंवताले. हाचे - ताचेकडेन पयशे मागताले. हें पळोवन एक दीस संदी पळोवन रितेशान आपल्या इश्टांक म्हणलें, ''कितें रे, तुमी सगळे म्हाका केंस मारता म्हूण

हांसताले आनी म्हर्जी फकाणां मारताले. पूण तुमी आतां कितें करतात? कामूय ना आनी कसलो धंदोय ना! दुसऱ्याक हांसता त्या मनशान आपणें कितें तरी करून दाखोवपाक जाय. पूण आयज म्हाका नोकरी मेळ्ळ्यार सुद्धां नाका, म्हजो धंदो बरो चलता. तुमचें आयकून हांव तुमचे बरोबर गेल्लों जाल्यार म्हजीय परिस्थिती तुमचेभाशेन जावपाची.'' अशें सांगतकूच सगळे तोंड वांकडें करून वताले.

कांय तेपान रितेशागेर चलो जालो. ताचें नाव राहूल दवरलें. रितेशान मनांत थारायल्लें, आपूण आपल्या चल्याक खूब शिकयतलों आनी ताचे इत्सेप्रमाण ताका नोकरेक लायतलों म्हण. रितेशाचे इत्सेप्रमाण राहूल शिकलोय बी. पूण राहुलाक मात बापूय केंस मारता तें पळोवन लज दिसताली. तो केन्नाच आपल्या दुकानाचेर वचनाशिल्लो. आनी आपले केंसूय थंय मारिनाशिल्लो. आवयक येवन म्हणटालो, ''कितें गे, बाबाक केंस मारपाशिवाय आनी कसलेंच काम मेळळें ना? म्हजे सगळे इश्ट म्हाका हांसतात, तुमी म्हाले काय म्हूण.'' मागीर आवय ताका समजायताली ''आरे, तुज्या इश्टानी तुका कितेंय म्हणूं. आमचेकडेन हें आतां जें कितें आसा तें सगळें तुज्या बापायनूच केलां. नोकरेक आशिल्लो जाल्यार इतलें करपाक पावचोय नाशिल्लो. इतली म्हारगाय वाडल्या कीं एकलो जोडून चार जाणांची पोटांच भरपाक उरतलो आशिल्लो''. पूण ताका तें पटना आशिल्लें. तो मात मनांत म्हणटालो, आपूण नोकरेक लागलों जाल्यार पयली बापायक केंस मारपाचें बंद कर म्हणटलो.

राहुलाचें शिकून जालेउपरांत रितेश चल्याक नोकरेक लावपाक खूब भोंवलो. कितल्याशाच जाणाचे पाय धरले. पूण कांयच उपयोग जालो ना. एक दीस राहूल बापायक म्हणपाक लागलो, ''म्हजो इश्ट दोन लाख दिवन कामाक लागलो. म्हजेकडेन आशिल्ले जाल्यार हांवूंय लागपाचों. लोकांक पांयां पडले म्हूण सिर्वीसो मेळनात, बरेऽऽ लाख दिवचे पडटात.''

हें आयकून आवय मात म्हणटाली, ''लाख म्हणपाक तोंडाचें न्हय ते, घाम काडपाक जाय.'' बापूय मात कांयच उलय नाशिल्लो. तो जाणा आशिल्लो, पुताकडेन नोकरेशिवाय आनी कांयच करपाक जावंचें ना म्हूण.

एक दीस दुकानाचेर रितेश कामासंबंदान कोणाकडेन तरी उलयतालो. ताचें तें उलोवणें ताच्या म्हऱ्यांत आशिल्ल्या एकल्यान आयकलें आनी ताका सांगलें, ''तुज्या चल्याक कामाक लावपाक जाय मरे? तें म्हजेर पावलें. फकत तीन लाखांची तयारी दवर''. रितेशाकूय दिसलें पयशांशिवाय आतां कांयच जावचें ना तांणें ताका हां म्हण सांगले. बरें म्हूण सांगून रितेश घरा आयलो. ताचेकडेन सुमार एक लाख रुपया आशिल्ले. आपलें दुकान घाणाक दवरलें. इश्टाकडल्यान थोडे पयशे घेतले आनी पयशांची तयारी केली. उतराप्रमाण त्या मनशान काम केलें. उपरांत तांणें मागिल्ले तीन लाख रुपया रितेशान ताका दिले. राहूल कामाक लागलो म्हण कळटकूच उमेदीन नाचपाक लागलो. आवय तर सामकी खोशी जाली. बापूय मात तितको खोशी नाशिल्लो. आतां आपूण कितें करतलो हेंच तो चित्तालो.

आपणें दुकान घाणाक दवरलां म्हण ताणें आपले बायलेक आनी पुताकूय सांगूंक नाशिल्लें. राहुलान मात थारायल्लें, पयलो पगार जातकूच आपूण बापायक दुकानाचेर वचपाचें बंद करतलों. पूण बापूय मात ताणें सांगचे पयलींच दुकानांत वचपाचो बंद जाल्लों. फकत घरांतूच आसतालो. कोणायकडेन चड उलय नासलो. कोणूय ताचेकडेन उलयलो जाल्यारूच तो उलयतालो. बापायक पळयतकूच राहुलाक मात्सो दुबाव पडलो. दुकानांत वचून राहुलान चवकशी केली. तेन्ना ताका कळळें कीं बापायन आपलें दुकान घाणाक दवरून आपणांक कामाक लायला. हें आयकून राहुलाक दूख्ख जालें. बापूय केंस मारपाचें काम करता म्हूण म्हाका लज दिसताली, पूण बापायन इतल्या वर्सांचें दुकान घाणाक दवरप म्हणल्यार आपले हात – पाय बंद दवरप अशें राहुलाक दिसलें.

मात राहुलान आपणाक कांयच खबर ना अशें करून वर्सभर काडलें. ताणें बापायन घाणाक दवरिल्लें दुकान सोडोवन हाडलें आनी घरा येवन बापायक सांगलें,'' बाबा, हांव शिर्विशेक लागल्यार एक वर्स जालें. पूण तुका हांवें कांयच दिलें ना. आयज हांवें तुका भेट दिवपाचें थारायलां.'' ताणें दुकानाचीं कागदां काडून बापायक दिलीं. तीं कागदां पळोवन बापायक आपल्या हाता-पांयांत घटसाण आयल्या कशें दिसलें. आपलें दुकान आपणांक मेळ्ळेंच, पूण पुताक आपल्या दुकानाचें मोल कळ्ळें म्हूण उमेदीन बापायच्या दोळ्यांत दुकां आयलीं. बापायच्या तोंडावेली उमेदीची भावना पळोवन राहुलान बापायक घट्ट वेंग मारली.

●●●

गोपी



गोपी हो एका गरीब घराण्यांतलो भुरगो. ताची आवय आनी बापूय सदांच दुयेंत आसतालीं. घरांत जोडपी कोणूच नाशिल्लो. आवय – बापायचें दुयेंस आनी पोटाचो प्रस्न गोपीचेर पडिल्लो. गोपी सदांच शाळेंत वतालो आनी परिस्थितीक लागून सांजेच्या आदेसाक कामाक वतालो.घरांत आवय आपल्याकडेन जाता जाल्यार रांदताली ना जाल्यार गोपी येवन घरांतलें रांदपय करतालो. ल्हवू ल्हवू बापायचें दुयेंस वाडत गेलें आनी बापूय भायर पडलो. ते उपरांत तर गोपीची आवय सामकीच हांतरूण धरून पडली.

गोपीक जायते फावट दिसतालें, बापूय दुयेंत खरो, पूण बऱ्या डॉक्टराक दाखयल्लें जाल्यार बरो जातलो आशिल्लो. आमची परिस्थिती सामकी गरिबीची आनी अशे परिस्थितींत पयशे तरी कोण दितलो आशिल्लो? असो तो आपल्याकूच प्रस्न करतालो आनी गरिबीक लागून हांव म्हज्या बापायक वाचोवंक शकलों ना, म्हूण खंतीय जातालो. पूण आवय तरी बरी जाल्यार पुरो, अशें तो देवाकडेन मागतालो. आवय बरी ना खरी, पूण तिचेखातीर तरी पयशे खंयच्यान हाडटलो? जें कितें जोडटा तें पोटापुरतेंच जाता म्हूण चिंतत बसतालो.

एक दीस असोच बशिल्लेकडेन ताचो इश्ट मंगेश तांगेर आयलो.

ताका गोपीची आवय सामकी दुयेंत आसा ती दिश्टी पडली. मंगेशान गोपीक विचारलें, “गोपी, तुजी आवय इतली बरी ना म्हूण तुवें म्हाका केन्नाच कित्याक सांगूंक ना?” गोपी वोगीच रावलो. मंगेशान गोपीक म्हणलें, “गोपी, आमच्या गांवांत हॉस्पिटल आसा थंय तिका व्हरुया.

त्या डॉक्टराकडल्यान तपासून घेवंया आनी तो कितें सांगता तें पळोवया. अशीच ती उरली जाल्यार तुका ती मेळची ना.” गोपीक तें खरें दिसलें आनी दुसऱ्याच दिसा तांणें आवयक डॉक्टराकडेन व्हरून दाखयली. डॉक्टरान आवयक तपासलें आनी सांगलें, “गोपी, तुज्या आवयचें ऑपरेशन एका म्हयन्या भितर करचें पडटलें आनी तें केल्यारूच ती वाचतली.” हें आयकून गोपी सामको भियेलो.आवयशिवाय आपल्याक आनी कोण ना हें चितूनच ताका सामको घाम सुटलो. कितें करतलो? तांणें भियेत भियेत ऑपरेशनाक कितलो खर्च येतलो काय म्हण डॉक्टराक विचारलें. डॉक्टरान ताका कमीत

कमी पन्नास हजार खर्च येतलो म्हणपाचें सांगलें. ताका कच्च जालें. तसोच तो आवयक घेवन घरा आयलो. आवय भळा भळा करून रडत 'ऑपरेशन करूं नाका' म्हणपाक लागली, ''पयशे खंय झाडाक लागतात? इतले पयशे खंयच्यान हाडटलो? आमकां जेवपाक सारकें मेळना. म्हजे खातीर तूं काडटा ते त्रासूय म्हजेकडेन पळोवपाक जायनात. आनीक कितले त्रास तूं काडटलो? कितें जावपाचें आसा तें जातलें. आमी फकत देवाचीच याद करुया. केन्नाय तरी देव आमची याद करतलो.'' पूण गोपीक तें पटना जालें.

गोपीक रातची न्हीद पडना जाली. पयशे खंयच्यान हाडचे आनी ऑपरेशन कशें करचें हेंच तो चिततालो. एका म्हयन्याभितर पन्नास हजार रुपया एकठांय करप म्हणल्यार फकाणा न्हय. ताका दिसलें चोरी केली जाल्यारच म्हजे काम जांव येता. आवयखातीर म्हाका कितें तरी करचें पडटलेंच अशें ताणें थारायलें. विचार करपाक दोन दीस बेश्टेच गेले. एक दीस मात तो असोच भायर सरून वचत रावलो. ताका वता आसतना वाटेर एक आरशाचें घर दिसलें. ह्या घरात चोरल्यार कितेंय मेळटलें म्हूण दोन - तीन फावट तो त्या घराकडेन गेलो. पूण ताचेकडेन तें कशेंच जायना जालें. आसूं नाकातच त्यो भानगडी, आपल्याकडेन जांवचे ना म्हूण तो घरा परतलो.

परत दुसऱ्या दिसा तो त्याच घराकडेन परतून आयलो. धाडस करून आनी देवाचें नांव घेवन ताणें त्या घराचें जनेल फोडलें आनी भितर गेलो. भितर पळय जाल्यार घरात व्हडलो उजो पेट्टालो. उजो व्हडलो व्हडलो जायत वतालो. घरात तर कोणूच नाशिल्लो. तो सामको भियेलें. ताणें घरांत हेवटेन तेवटेन पळयलें. भितर ताका उदकान भरिल्ले बॅरल दिसलें. ताणें त्या बॅरलांतलें उदक घेवन सगळो उजो पालयलो. तितले म्हणसर घरांतलीं सगळीं मनशां भितर सरलीं. भितर तांकां सगळें जळिल्लें आनी कुशीक एक भुरगो उजो पालयता तें दिश्टी पडलें. तीं सगळीं त्या भुरग्या म्हऱ्यांत आयलीं आनी अजापीत जावन, 'उजो कसो पेटलो? तूं भितर कसो पावलो?'' म्हूण

विचारपाक लागलीं. पयलीं गोपी तांकां पळोवन सामको भियेलो. कितें सांगप आनी कितें नाका हें ताका कळना जालें. पूण ताणें म्हणलें, "हांव हेवटेन वतालो. म्हाका जनेलांतल्यान भितर उजो पेट्टा तो दिसलो म्हूण हांव जनेलाकडेन आयलो जाल्यार म्हाका भितरल्यान जळिल्ल्याचो वास आयलो. आकांतान कितें जालां तें पळोवया म्हूण हांवें पयलीं दाराचेर मारलें आनी मागीर जनेल फोडून भितर गेलों. भितर पळयत जाल्यार सगळ्याक उजो पेट्टालो आनी उजो वाडत वतालो घरांत कोण आसा काय म्हूण पयलीं पळयलें. पूण भितर कोणूच दिसलो ना. पूण इतल्यांत उदकान भरिल्लें बॅरल म्हाका दिश्टी पडलें. तें उदक घेवन हांवें उजो पालयलो. हें आयकून आनी ह्या भुरग्यान केल्लें धाडस पळोवन तांकां त्या भुरग्याचें कौतुक दिसलें. ह्या भुरग्याखातीर आमचें घर वाटवलें अशें तांकां दिसलें आनी ताच्या ह्या धाडसाखातीर त्या घरच्या लोकांनी ताका पांच हजार रुपया इनाम दिलें. गोपीन देवाचे उपकार मानले आनी ते पयशे घेवन घरा आयलो.

दुसऱ्या दिसा गोपी बेगीन उठलो, परतून खंय वचूं म्हूण चितपाक लागलो. कामाचेरूय ताचें लक्ष लागना जालें. खंय पावता थंय पावूं म्हूण चलत रावलो. आपूण खंय पावला ताचें ताका भान नाशिल्लें. चलता चलता बरीच रात जाल्ली. थंय ताका एक घर दिश्टी पडलें. घराचे जनेल उगडें आशिल्लें. गोपीक दिसलें. बरे जालें, देवूच आपल्याक पावलो म्हूण ताणेच आपल्याक भितर वचपाक जनेल उगडें दवरलां आसतलें म्हूण ताणें जनेलातल्यान भितर पळयलें. आनी तो जनेलातल्यान भितर सरलो. भितर एके कुडींत एके जाणटे बायलेक आनी तिच्या दोगां भुरग्यांक बांदून दवरिल्लें कुशीक दोन चोर घरांतल्यो वस्तू बॅगान भरतालें. हे सगळें गोपी पळोवन अजापीत जालो. आनी अचकीतक भुरग्यांक बांदिल्ली दोरी सोडयली. इतले म्हणसर शेजारी धावंत आयले आनी गोपीक चोर समजून मारपाक गेले ते जाणटेलेन 'तो चोर' न्हय म्हूण बेगी - बेगीन वचून ताका सोडयलें हो भुरगो आमकां

देव कसो पावला, ताणेंच आमका सोडयला आनी आमच्या घरच्यो वस्तूय आमकां मेळळ्यात. हें आयकून जमिल्ल्या लोकांनी ताका विचारलें, 'बाबा तूं भितर कसो पावलो?' अशे विचारना बरोबर गोपी सामको भियेलो, आता हांकां कितें सांगचें तें ताका कळना जालें. तरी भियेत भियेतूच सांगलें, 'हांव हे वाटेन चलत वतालों. म्हाका ह्या घराचें जनेल उगडे आसा तें दिसलें म्हूण



हांवे भितर पळयलें जाल्यार एके जाणटे बायलेक दोरयेन बांदून दवरल्या तें म्हाका दिश्टी पडलें. तेन्ना हांव जनेलांतल्यान भितर सरलों. गोपीचीं उतरां आयकून आयिल्ल्या लोकांनी ताची तोखणाय केली. ते जाणटेलेन गोपीक 'आमकां तूं देवूच कसो पावलो, म्हूण आपणाकडले धा हजार रुपया इनाम दिलें. गोपीकूय दिसलें, म्हाका आवयच्या ऑपरेशनाखातीच हे पयशे मेळ्ळ्यात आसतले. गोपी ते पयशे घेवन घरा आयलो. ताचेकडेन आतां

सगळे पंदरा हजार रुपया जाल्ले. ताका चोरी करपाची मनांतल्यान इच्छा नाशिल्ली. पूण आवयच्या ऑपरेशनाखातीर ताका हें सगळें करचें पडटालें.

गोपीन आपले आवयक इनाम म्हूण पंदरा हजार रुपया मेळिल्ल्याचें सांगलें. पूण आपूण चोरी करपाक गेल्लों हें मात आवयक सांगूंक ना. इनाम मेळ्ळां हें आयकून आवयन खोशयेन गोपीचे फाटीवेल्यान हात फिरयत सांगलें, ''सदांच दुसऱ्याचें बरें केल्यार आपलेंच बरें जाता. अशेंच कोणाचेय अडचणेक पाव. तुका देव पावतलो.'' गोपीक आवय कितें सांगता तें कळटालें, पूण उरिल्ले पयशे खंयचे हाडचे म्हूण तो विचार करतालो.

आतां चोरी करप ना अशें ताणें चितलें. पूण आवयचें ऑपरेशन आनी डॉक्टरान दिल्ली एका म्हयन्याची मुदत ताका याद दिताली. कितें करतलो? आवयचें ऑपरेशन कशेंय तरी करपाक जाय अशें ताणें थारायलें. दुसऱ्या दिसा सकाळीं चारांक उठून तो आपले आवयक पांयां पडलो आनी मेळटा ते वाटेन चलत रावलो. चलतां चलता तो एका घरा सामकार उबो रावलो. थंय उबो राविल्लेकडेन ताका त्या घरांतल्यान मोट्यान आवाज आयकुपाक आयलो. कसलो आवाज काय म्हूण पळोवपाक तो बरो वेळ थंय उबो रावलो. पूण आवाज येतालो तो पिरंगण्या भशेन कोण तरी दुयेंत आसा अशें ताका जाणवूंक लागलें, म्हूण ताणें त्या दाराचेर आवाज केलो. पूण कोणूच दार उगडना जालो. मागीर तो जनेलाक धरून वयर चडलो. घराचे नळे काडले आनी घरांत भितर सरलो. घर भायल्यान व्हडलें दिसतालें. तशें भितरूय व्हडलें आशिल्लें. घरांत आवाज येता ते वाटेने तो भितर सरलो. भितर एके खाटीचेर एक जाणटो दादलो वळवळटा तो ताका दिश्टी पडलो. ताका पळयतकर गोपीक आपल्या बापायची याद आयली. तोवूय तेन्ना असोच वळवळटालो. तो दुयेंत आसा हें स्पश्ट दिसतालें. ताणें त्या दादल्याक 'बाबा' म्हूण उलो मारलो. ते बरोबर ताणें 'आपल्याक कितें जाता, बेगीन उपकार करून डॉक्टराकडेन व्हर' म्हूण सांगलें. वेळ काडीनासतना गोपीन त्या

जाणट्या मनशाक डॉक्टराकडेन व्हेलो आनी दीस जायसर ताच्या म्हऱ्यांत बसून रावलो. डॉक्टरान बरोवन दिल्लीं वखदांबी सगळीं आपणेंच हाडून दिलीं आनी तो बरो जातकूच ताका घरा व्हरून पावयलो. जें कितें आपणें पयशे एकठांय केल्ले, ते ताणें त्या जाण्ट्या मनशाच्या दुयेंसाखातीर खर्च केले. त्या जाण्टेल्यान गोपीक विचारलें, 'पुता, तूं हांगा कसो पावलो?' तेन्ना गोपीन घडिल्ली सगळी गजाल ताका सांगली. त्या जाण्टेल्याक दिसलें, हो गरीब आसलो तरी मायेस्त आनी दुसऱ्याक पावपी. आपूण ताचो कोणूच नासतना आवयच्या ऑपरेशनाखातीर जें कितें एकठांय केलें ते ताणें आपल्या वखदाक खर्च केलें. पयशे आशिल्लो मनीस सुद्धा असलें धाडस करचो ना. पूण गोपीन हें केलें म्हूण ताकाय गोपी मनापासून आवडलो. जाण्टेल्यान गोपीक सांगलें, "पुता, म्हाका आनी कोणूच ना." तुवें म्हजेर उपकार केल्यात. तेन्ना तुजे आवयच्या ऑपरेशनाचो सगळो खर्च हांव करतलों. तुमी दोगांय येवन म्हजेकडेन रावात. म्हाकाय कोण ना. तूं म्हजोच पूत." हीं उतरां आयकुन गोपीक आपल्या आवयच्या उतरांची याद जाली. तिणें म्हणिल्लें, "तूं दुसऱ्यांक पावलो जाल्यार तुकाय एक दीस कोण तरी पावतलोच." आनी खरेंच, आपल्याक देव पावलो म्हूण ताका सुमारा भायली खोस जाली.

●●●

भुरग्यांविशीं काळजांत उपाट मोग आसले बगर अश्यो काणयो कोणाकूच बरोवंक येवपाच्यो नात. कोंकणी बरपावळींत कविता म्हळी म्हणटकूच बाकीबाब दोळ्यांमुखार उबे रावतात. कथा म्हळ्यो म्हणटकूच चन्द्रकान्त केणी उबे रावतात. नाटकां म्हळीं, बाब पुंडलीक नायक उबे रावतात. दिसपट्टी, प्रवासवर्णनां, ललीत निबंद म्हळें, रवीन्द्र केळेकार उबो रावता तश्यो भुरग्यांल्यो काणयो म्हणिनाफुडें लोकांमुखार बाय कुमुद नायक उबें रावतलें हे विशीं आतां म्हज्या मनांत इल्लोय दुबाव उरूंक ना.

– रविंद्र केळेकार

जैत प्रकाशन